वर्स 6 ◆ अंक 340 ◆ पानां 8 ◆ मोल ₹ 3.00 / पणजी / मडगांव / गोंय REGD NO. G-2/RNP/GOA/28/2017-19 ◆ RNI: GOAKON/2016/69208 Facebook.com/Bhaangarbhuin @ Bhaangarbhuin instagram.com/ Bhaangarbhuin epaper.thegoan.net

शेनवार, 28 मे 2022

लोकभाशेंत लोकांचो आवाज

# भांगरभूंय

राजस्थान »8
14 वर्सांनी फायनलींत

## › तिठ्यार

### सेंट्रल बँक, इंडियन ओव्हरसीज ह्या बँकांचें खाजगीकरण

**नवी दिल्ली:** सेंट्रल बँक आनी इंडियन ओव्हरसीज ह्या दोन भौशीक बँकांच्या खाजगीकरणाच्यो हालचाली आतां सुरू जाल्यात. कॅबिनेट सचिवांचे अध्यक्षताये खालच्या समुहान हे विशींची शिफारस धाडिल्ली आसून केंद्रीय मंत्रीमंडळ हाचेर म्होर मारतलें. भौशीक मळा वयल्यो सरकारी कंपनीं, बँको हांचें खाजगीकरण करपाचें धोरण केंद्र सरकारान आंखला.

### ओम प्रकाश चौटालाक चार वर्सांची बंदखण

**चंदिगढ:** हरियाणाचे आदले मुख्यमंत्री ओम प्रकाश चौटाला हांकां बेहिशोबी मालमत्ता प्रकरणांत न्यायालयान चार वर्सांची बंदखण आनी 50 लाखांचो दंड घाला. चौटाला हांणी दुयेंत आशिल्ल्यान आनी केस पोरणी आशिल्ल्यान सहानुभुती मागिल्ली. तेच बरोबर भ्रश्टाचार हो समाजा खातीर कांक्र दुयेंसा सारको आसा. भ्रश्टाचाराच्या प्रकरणांत न्यायालयान अशी ख्यास्त दिवची, जेणे करून समाजांत एक आदर्श निर्माण जातलो अशें सीबीआयन म्हणिल्लें.

### ॲम्बेसॅडराचें जातलें पुनरागमन?

**नवी दिल्ली:** एका काळार वाहन बाजारांत राज्य करपी ॲम्बेसॅडर कार नव्या अवतारांत परतून बाजारांत येवपाची शक्यताय आसा. हे खातीर हिंदुस्तान मोटर्स कंपनी नेटान तयारीक लागल्या. हिंदुस्तान मोटर्स कंपनी ॲम्बेसॅडराक इलेक्ट्रीक रुपांत बाजारांत हाडपाचो विचार करता.

### पंजाब मुख्यमंत्र्याचो निर्णय राज्यपालान भायरायलो

**चंदिगढ:** पंजाबांत आम आदमी पक्षान भोवमतान सरकार स्थापन केलें. सत्तेत आयले उपरांत भगवंत मान सरकारान व्हड निर्णय घेवन 'एक आमदार एक पेन्शन' जाहीर केल्लें. आतां मात एका आमदाराक फक्त एक टर्म पेन्शन मेळपाचे आसून ताका लागून वर्साक 19 कोटी रुपयांची बचत जातली अशें सांगतात. ते खातीर भगवंत मान सरकारान आदल्या आमदारांक पेन्शन दिवपाच्या अध्यादेशाची फायल पंजाबचे राज्यपाल बनवारीलाल पुरोहीत हांचे कडेन धाडल्या. पूण राज्यपालान हे फायलीचेर सय करपाक न्हयकार दिला.

## › संपादकीय

शिवोलेचो बाबा

## › तापमान

| | |
|---|---|
| चडांत चड | 33 |
| उण्यांत उणें | 28 |

## › शॅर बाजार

| | |
|---|---|
| सेन्सेक्स | 54,884.66 |
| निफ्टी | 16,352.45 |

## › भांगर-रुप्याचें मोल

भांगर (10 ग्राम ) रु. 52,695
रुपे (एक कील) रु. 62,150

## › दावखूल

महेश दिवेकार

पंचायत प्रशासकाचेर अविस्वास थाराव हाडपाक मेळटा, सर ?

# संजिवनींत साकरे बदला इथेनॉल

## जून मेरेन इथेनॉल प्रकल्पाची प्रक्रिया सुरू जावप शक्य

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

**पणजी : संजिवनी साकर कारखान्यांत इथेनॉल प्रकल्पा खातीर आरएफक्यू (रिक्वेस्ट फॉर कोटेशन) मागोवपाक पीपीपीचे बसकेंत मान्यताय मेळ्ळ्या. हाका लागून अंदूंच्या हंगामांत संजिवनींत इथेनॉल तयार जावप शक्य आसा. आरएफक्यू सादर जाले उपरांत जून मेरेन इथेनॉल प्रकल्पाचें काम सुरू जावपाची शक्यताय आसा. इथेनॉल प्रकल्पा खातीर डेक्कन शुगर टेक्नोलॉजी असोसिएशनान प्रकल्प आराखडो सादर केला.**

ते भायर बिठ्ठोणां गोवा इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅरिटायम एक्सलन्स आनी दाबोळी हांगाच्या जागेचो वेवसायीक वापरा खातीर विकास करपी प्रकल्पाच्या इत्सा प्रस्तावांक (आरएफपी) मान्यताय दिल्या.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला पीपीपी (भौशीक खासगी भागिदारी) फांट्याची बसका जाली. हे बसकेक कृशी मंत्री रवी नायक, मुखेल सचीव पुनीतकुमार गोएल, पीपीपी फांट्याचे संचालक डॉ. एस. शनबोगे तशेंच हेर सचीव हाजीर आशिल्ले. बसकेंत सगल्या प्रकल्पांचे सादरीकरण जालें. इथेनॉल प्रकल्पा खातीर आरएफक्यू जारी करपाक मान्यताय दिली, अशी म्हायती पीपीपीचे संचालक डॉ. एस. शनबोगे हांणी दिली.

संजिवनी साकर कारखानो खूबशीं वर्सां लुकसाणेंत आसा. कारखान्याची मशिनरी दुरुस्त करपाचेर सरकारान कोट्यांनी रुपया खर्च केल्यात. देखभाली खातीर वर्साक 5 कोटी रुपया खर्च जाता. हो कारखानो चलचो अशी शेतकारांची मागणी आसा. संजिवनी साकर कारखान्यांत साकर तयार करप परवडचें ना. म्हूण इथेनॉल निर्मितीचो प्रस्ताव मुखार आयलो. इथेनॉल निर्मितीचेर अभ्यास करपा खातीर सरकारान आदले खासदार ॲड. नरेंद्र सावयकार हांच्या फुडारपणा खाला समिती स्थापन केल्ली. अंदूंच्या हंगामांत इथेनॉल प्रकल्प सुरू करपाचे यत्न आसात.

बसकेंत रिक्वेस्ट फोर कोटेशन जारी करपाक मान्यताय दिल्या. आरएफक्यू निविदा जारी जाले उपरांत कंपनीं प्रकल्पाची बोली सांगतले. ह्या बोलींचो विचार करून रिक्वेस्ट फॉर प्रोपोजल (आरएफपी) खातीर कंपनींची निवड जातली. जून मेरेन आरएफपी खातीर मान्यताय मेळप शक्य आसा. आरएफपी सादर जाले उपरांत कंपनीची निवड जातली. पुराय प्रकल्प पीपीपी तत्वाचेर कार्यान्वीत जातलो. सरकार एकूय पयसो खर्च करचो ना. मोपा विमानतळा खातीर जशी प्रक्रिया जाल्ली, तशीच प्रक्रिया इथेनॉल प्रकल्पा खातीर जातली, अशें पीपीपी फांट्याचे संचालक डॉ. एस. शनबोगे हांणी सांगलें.

इथेनॉल प्रकल्पाक केंद्रा कडल्यान अनुदान मेळटलें. पीपीपी तत्वाचेर प्रकल्प जातलो. हाका लागून राज्य सरकाराक पयशे खर्च करचे पडचे नात.

दिसाक 40 हजार लिटर इथेनॉल तयार करपाची तांक आशिल्लो

➔ पान 2 चेर

### पीपीपी फांट्याची आरएफक्यूक मान्यताय

### हेर दोन प्रकल्पांचे आरएफपी

बिठ्ठोण हांगा गोवा इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅरीटायम एक्सलन्स संस्था जावपाची आसा. बसकेंत ह्या संस्थेच्या इत्सा प्रस्तावाचें सादरीकरण जालें. तशेंच दाबोळी विमानतळा लागसारचे जनीचो वेवसायीक कामां खातीर विकास करपी प्रकल्पाचें सादरीकरण जालें. ही जमीन मुरगांव पीडीए खाला येता. दोनूय प्रकल्पांच्या आरएफपीक मान्यताय मेळ्ळी.

# लडाखांत लश्कराची बस न्हंयेंत कोसळून 7 जवानांक मरण

■ खबरां संस्था

**लडाख:** लडाखांतल्या तुरतूक सॅक्टरांत भारतीय लश्कराची बस न्हंयेंत कोसळिल्ल्यान 7 जवानांक मरण आयिल्ल्याची धक्को दिवपी घडणूक घडली. जाल्यार हेर जवान जखमी जाल्यात. हे बशींत वट्ट 26 जवान प्रवास करताले. दुर्घटने उपरांत ताकतिकेन मजतकार्य सुरू केलां. जखमी जवानांक सर्वोत्तम उपचार मेळचे हे खातीर यत्न जायत आशिल्ल्याची म्हायती लश्कराच्या सुत्रांनी दिल्या.

थोईस सावन 25 किलोमिटर अंतराचेर हे बशीक अपघात जालो. जवानांची बस श्योक न्हंयेंत कोसळ्ळी. बशींत 26 जवान आशिल्ले. बस 50 ते 60 फूट खोल कोसळिल्ल्यान बशींत आशिल्ले सगलेच जवान जखमी जाले. तातूंतल्या 7 जवानांक मरण आयलें. जखमी जाल्ल्या जवानांक उपचारा खातीर परतापूर हांगासरल्या 403 फिल्ड हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात. सर्जिकल पंगडाक लेह सावन परतापूराक धाडिल्ले.

गंभीर जखमी जाल्ल्या जवानांचे मजती खातीर हवाई दळा कडेन संपर्क सादला. तांकां उपचारां खातीर वेस्टर्न कमांडाक धाडूंक शकतात. बशीक अपघात कित्याक लागून जालो हाचें फाटलें कारण अजून स्पश्ट जावंक शकलें ना. लश्करान अजून तरी अपघाता विशींची अधिकृत म्हायती दिल्ली ना. ट्रांझिस्ट कॅम्प सावन सब सॅक्टर हनिफाक वता आसतना हो अपघात जालो.

# फक्त नांवा खातीर आशिल्ल्या राजकी पक्षांचेर जातली कारवाय

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

**पणजी :** फक्त नांवा खातीर नोंदणी जाल्ल्या राजकी पक्षांचेर कारवाय करपाचे संकेत केंद्रीय वेंचणूक आयोगान दिल्यात. हाका लागून गोंयांतल्या 10 नोंदणीकृत पक्षांचेर कारवाय जावपाची शक्यताय आसा. जे पक्ष वेंचणुकेंत वांटो घेनात, तशेंच खर्चाचो तपशील सादर करिनात, तांचेर कारवाय करपाचे संकेत केंद्रीय वेंचणूक आयोगान दिल्यात.

गोंयांत 10 नोंदणीकृत आनी मान्यताय नाशिल्ले राजकी पक्ष आसात. ह्या सगल्यांची नोंदणी रद्द जावपाची शक्यताय आसा. गोंय राष्ट्रवादी पक्ष, गोवा विकास पक्ष, युनायटेड गोअन्स डेमोक्रॅटीक पार्टी, सत्तरी युवा मोर्चा, गोवा प्रजा पार्टी, गोवा सुराज पार्टी, गोवा सुरक्षा मंच, नीज गोंयकार, रिव्होल्युशन फ्रंट, युनायटेड गोअन्स पार्टी, गोंयकारांचो आसरो ह्या पक्षांची नोंदणी आसा. हे पक्ष वेंचणुकेंत वांटो घेनात, तशेंच अहवाल सादर करिनात. हाका लागून ह्या पक्षांचेर कारवाय जावप शक्य आसा. गोंयांतल्या ह्या पक्षांनी वैधानीक अटी मोडल्यात काय हाचो उल्लेख वेंचणूक आयोगान करूंक ना. नोंदणीकृत आनी मान्यताय नाशिल्ल्या पक्षांनी वेंचणूक आयोगान 30 दिसां भितर अहवाल सादर करप गरजेचो आसा. अहवाल सादर केलो ना जाल्यार कारवाय निश्चीत आसा.

देशांत 2796 नोंदणीकृत आनी मान्यताय नाशिल्ले राजकी पक्ष आसात. हातूंतल्या 2100 पक्षांचेर टप्प्याटप्प्या कारवाय करपाचे संकेत केंद्रीय वेंचणूक आयोगान दिल्यात. देशांतले हे 2100 पक्ष वेंचणुकेंत वांटो घेनात. ते भायर वसुर्की अहवाल तशेंच खर्चाचो तपशील ते सादर करिनात. मात देणगी घेवपा सयत ते आयकरांत सूट मेळयतात.

कांय राजकी पक्षांक प्रादेशीक मान्यताय आसा. जाल्यार कांय राजकी पक्षांक राष्ट्रीय मान्यताय आसा. वेंचणूक लडोवपा सायत थारावीक मतां मेळ्ळे उपरांतूच ही मान्यताय तिगून उरता. गोवा विकास पक्ष, सत्तरी युवा मोर्चा, गोवा प्रजा पार्टी, युनायटेड गोअन्स डेमोक्रॅटीक पार्टी हांणी अंदूंची विधानसभा वेंचणूक लडोवंक ना. गोवा सुरक्षा मंचान 2017 वर्साची विधानसभा वेंचणूक लडयिल्ली. अंदूंची वेंचणूक मात लडयली ना. गोवा विकास पक्षान 2012 तशेंच 2017 वर्साच्यो विधानसभा वेंचणुको लडयिल्ल्यो. गोवा सुराज पार्टीन अंदूंचे वेचणुकेंत रिव्होल्युशनरी गोअन्स पक्षा कडेन समजिकाय केल्ली. तरी ह्या पक्षाची स्वतंत्र नोंदणी आसा. राज्यां सयत देशांत बरेच पक्ष वेंचणुके वेळार तयार जातात. नोंदणी उपरांत एक वा दोन वेंचणुको लडयले उपरांत ते गायब जातात. वेंचणूक आयोगा कडेन तांची नोंदणी मात आसता. ह्या राजकी पक्षांक आतां चाप बसतलो.

### केंद्रीय वेंचणूक आयोगान दिले संकेत

## धावी परिक्षेचो निकाल फुडल्या सप्तकांत

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

**पणजी :** मे म्हयनो सोंपलो तरी शालान्त मंडळाच्या धावेच्या निकालाची तारीख अजून निश्चीत जावंक ना. धावेचो निकाल आयज जावपाची शक्यताय आशिल्ली. निकाल फुडल्या सप्तकांत जातलो, अशी म्हायती शालान्त मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी दिली.

फाटल्या शेनवारा बारावेचो निकाल जाहीर जाल्लो. बारावेचो निकाल जाले उपरांत चार दिसांनी धावेचो निकाल जाहीर जाता. अंदूं मात धावेच्या निकालाक उशीर जाता.

राज्यांतल्या 20,594 विद्यार्थ्यांनी धावेची परिक्षा दिल्या. धावेचे परिक्षेक 10,539 विद्यार्थी जाल्यार 10,055 विद्यार्थींनी बशिल्ल्यो.

धावेच्या गणीत आनी विज्ञान विशया खातीर 15 मिणटांचो चड वेळ दिल्लो. विद्यार्थ्यांक बरोवपाचो सराव ना. हाचे खातीर गणीत, विज्ञान विशयाक चड वेळ दिल्लो. हेर विशयां खातीर मात पयलीं सारकोच वेळ आशिल्लो. 400 विद्यालयांनी धावेची परिक्षा जाली.

# दोन दिसांत मॉन्सून केरळांत पावुये

## 4 जून मेरेन मॉन्सून गोंयांत पावपाचो अदमास

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

**पणजी :** वातावरणांत बदल जाल्ल्यान मॉन्सून प्रवासाची गती कांय प्रमाणांत उणी जाल्ली आसली तरी येता त्या दोन दिसांत मॉन्सून केरळांत पावतलो. 4 जून मेरेन मॉन्सून गोंयांत पावपाचो अदमास आसा. पयली 27 मेक मॉन्सून केरळांत पावतलो असो अदमास आशिल्लो.

शुक्रारा केरळांत मॉन्सून पावूंक ना. हाका लागून ही तारीख चुकल्या. मालदीव, लक्ष्यद्वीप ह्या वाठारांनी मॉन्सून पावला. केरळांत दोन दीस उसरां पावलो जाल्यार गोंयांत लेगीत मॉन्सूनाक मात्सो उशीर जातलो. केरळा सावन गोंयांत मॉन्सून पावपाक चार दीस लागतात. हाका लागून गोंयांत मॉन्सून 4 जूना मेरेन पावपाची शक्यताय आसा.

2021 वर्सा गोंयांत मॉन्सून 5 जूनाक पाविल्लो. हाचे आदल्या वर्सा मॉन्सून गोंयांत 20 जूनाक पाविल्लो. अंदूं तो बरोच पयली पावतलो असो हवामान खात्याचो अदमास आशिल्लो. हो अदमास मे म्हयन्याचे सुरवेचो आशिल्लो. हाचे उपरांत असनी चक्रीवादळ तयार जालें. असनी चक्रीवादळाक लागून गोंयांत पावस पडलो. मॉन्सूनाचे वाटचालीचेर परिणाम जावंक ना. मॉन्सूनाचे वाटचालीक पुरक वातावरण आसलें तरी ताची गती आतां उणी जाल्या. तरी हाचे पयली केरळ सावन गोंयांत मॉन्सून पावपाक धा दीस लेगीत लागिल्ले आसात. गोंयांत 6 ते 7 जून मेरेन मॉन्सून पावता. अंदूं तो दोन दीस पयली पावपाचो सध्याचो अदमास आसा.

हवामान सामान्य आशिल्ल्यान कडक वत पडटा. वताक लागून परतून गरमी जावपाक सुरवात जाल्या. बिरेस्तारा रातीं कडेन वास्को, बांबोळी ह्या वाठारांनी पावस पडलो.

# दुबावीत डॉमनीक डिसोझाक जामीन मंजूर

## जामीन मेळ्ळे उपरांत हॉस्पिटलांतल्यान रोखडोच परतलो घरा

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

**म्हापशें:** धर्मांतरण प्रकरणांत दुबावीत डॉमनीक डिसोझा हाका परतून असो गुन्यांव करप ना तशेंच परवानगे बगर गोंय सोडून वचप ना ह्या अटीं सयत सशर्त जामीन मंजूर केला. जाल्यार दुबाविताची घरकान्न जोऑन मास्कारेन्हस ई डिसोझा हिणें अटकपूर्व जामिना खातीर जिल्हो न्यायालयांत धांव घेतल्या.

दुयेंसांतल्यान बरें करपाचें हांयस दाखयत बळजबरेन धर्मांतर करपाक भाग पाडपाचो यत्न केल्ल्याच्या आरोपा खाला म्हापशें पुलिसांनी सडयें-शिवोलेच्या फायव्ह पिलर्स चर्चीचे सर्वेसर्वा आनी आपघोशीत गॉड मॅन दुबावीत डॉमनीक डिसोझा हाका अटक केल्ली. अटक केले उपरांत रोखडेंच भलायकेचे कारण सांगून दुबावीत जिल्हो हॉस्पिटलांत उपचारा खातीर दाखल जाल्लो.

कागाळदार प्रकाश कृष्णा खोब्रेकार (कुचेली, म्हापशें) आनी कागाळदार निखील शेट्ये (खोर्ली, म्हापशें) हांणी हे विशीं पुलिशेंत लेखी कागाळ दाखल केल्ली. ते प्रमाण दुबावीत डॉमनीक डिसोझा, तांची घरकान्न जोऑन मास्कारेन्हस ई डिसोझा आनी तांच्या हेर वांगड्यां आड पुलिसांनी भादंसं कलम 153 अ, 295 अ, 506(2) तशेंच जादुटोणो प्रतिबंधक कलम 3 आनी 4 प्रमाण गुन्यांव दाखल केल्लो.

शुक्रारा दुबावीत डिसोझान जामिना खातीर हांगासरल्या पयलो वर्ग न्यायालयांत अर्ज दाखल केल्लो. ह्या अर्जाचेर जाल्ले सुनावणे उपरांत न्यायालयान 10 हजाराच्या बॉण्डा सयत तितल्याच किमतीच्या थळाव्या हमिदारा सयत सशर्त जामीन मंजूर केलो. जामीन मेळटकूच दुबावीत हॉस्पिटलांतल्यान डिस्चार्ज घेवन रोखडोच घरा गेलो.

ह्या प्रकरणाचे चवकशे खातीर आपयले उपरांत तपास अधिकाऱ्यां मुखार हाजेरी लावची, पुराव्याची छेडछाड करची न्हय, अर्जदाराचेर जो गुन्यांवाचो आरोप आसा तशे पद्दतीचो गुन्यांव परतून करचो न्हय, खटल्याची वस्तुस्थितीची म्हायती आशिल्ले खंयचेय व्यक्तीक प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष रितीन हांयस, धमकी वा हमी दिवची न्हय. न्यायालयाचे परवानगे बगर गोंया भायर वच्चें न्हय. निर्देश येतले तेन्ना न्यायालया मुखार हजर रावचें अश्यो अटी ह्या जामीन मंजुरीपत्रांत न्यायालयान नमूद केल्यात. दुबाविता वतीन न्यायालयांत ॲड. कपील केरकार हांणी बाजू मांडली.

दुबावितान न्यायालयांत दोन जामीन अर्ज दाखल केल्ले. पूण ताका दोना मदल्या एकाच गुन्यांवांत अटक जाल्ली. ताका लागून दुसरो अर्ज ताणे सुनावणे वेळार फाटीं

➔ पान 2 चेर

ट्रॉपावाडो सडयां डॉमनीक डिसोझाच्या मालमत्तेच्या प्राकारांत तैनात केल्ले पुलीस.

गोंयांतल्या लोकांक हांयसां दाखोवन तांची बळजबरेन धर्मांतरां करपी डॉमनीक डिसोझाचेर खर कारवाय करची. सरकारान अशा धर्मांतरांचेर बंदी घालची अशी मागणी हिंदू संघटणांनी केल्या. हे संबंदीचें निवेदन उपजिल्होधिकाऱ्यांक सादर केलां. धर्मांतरां आडावपा खातीर सरकारान धर्मांतर बंदी कायदो करचो अशी मागणी ह्या निवेदनांतल्यान केल्या. डॉमनीक डिसोझाच्या अर्थीक वेव्हाराची चवकशी करची. तशेंच जांचें धर्मांतर जालां तांकां राखण दिवची अशीय मागणी निवेदनांतल्यान केल्या.

ह्या प्रकरणांतली दुसरी दुबावीत घरकान्न जोऑन मास्कारेन्हस ई डिसोझा हिणें आपली अटक टाळपा खातीर जिल्हो न्यायालयांत अटकपूर्व जामीन अर्ज दाखल केला. शुक्रारा सादर केल्लो हो अर्ज न्यायालयांत दाखल करून घेतला. पूण ह्या अर्जा वयली सुनावणी निश्चीत केल्ली ना.

# 20 कोरोना दुयेंती मेळिल्ल्यान सक्रीय दुयेंतींचो आंकडो वाडलो

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी



**पणजी :** काल (शुक्रारा) जाल्ल्या 680 चांचण्या उपरांत कोरोनाचे 20 दुयेंती मेळिल्ल्यान दुयेंती मेळपाचें प्रमाण 2.94 टक्के जालां. खूबशा दिसा उपरांत दुयेंती मेळपाचें प्रमाण दोनाचे फुडें गेलां. 15 दुयेंती बरे जाल्ल्यान सक्रीय दुयेंतींचो आंकडो 106 चेर पावला.

तिसरें ल्हार सोंपले उपरांत दिसाक दुयेंती मेळपाचें प्रमाण सामकें उणें जालें. एप्रीलात दिसाक 5 ते 6 दुयेंती मेळटाले. आतां मात दुयेंती मेळपाचें प्रमाण वाडपाक लागलां. दिसाक 10 वयर दुयेंती मेळटाले. शुक्रारा एकाच दिसा 20 दुयेंती मेळ्ळे. मे म्हयन्यांत दिसाक सगल्यांत चड दुयेंती काल (शुक्रारा) मेळ्ळ्यात.

आतां मेरेन कोरोनाचे 245740 दुयेंती मेळ्ळ्यात. हातूंतले 241802 दुयेंती बरे जाल्ल्यान सध्या 106 सक्रीय दुयेंती आसात. आतां सगले दुयेंती घरा आयझोलेशनांत रावतात. हॉस्पिटलांत कोणाकूच भरती करिनाशिल्ल्यान डिस्चार्ज दिवपाचो प्रस्नूच येना. दुयेंती बरे जावपाचे प्रमाण 98.40 टक्के आसा. शुक्रारा 680 चांचण्यो जाल्ल्यान आतां मेरेन 1949077 चांचण्यो जाल्यात. आतां मेरेन 190638 दुयेंती घरा आयझोलेशनांत रावले जाल्यार 31422 दुयेंती उपचारा खातीर हॉस्पिटलांत रावले. कोरोना बळींचो आंकडो 3832 आसा.

# म्हादय आटल्या, गुळेली तानेल्या

## न्हंये देगेचे पंप खरशेल्यात; दोन दीस उदका पुरवणेचेर परिणाम

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**वाळपय:** गुळेली वाठारांत फाटल्या दोन दिसां सावन उदका पुरवण जायना. म्हादय देगेर आशिल्ले उदकाचे पंप सध्या उदक ओडपाक असमर्थ थारल्यात. ताका लागून ताचो परिणाम उदका पुरवणेचेर जाला. मेळिल्ले म्हायती प्रमाण म्हादय न्हंयेदेगे वयल्या गांजे वाठारांत बांदाचें आडायिल्लें उदक सोडलां. ताका लागून न्हंयेच्या उदकाची पातळी सकयल गेल्या आनी उदक ओडपा खातीर बसयिल्ल्या पंपाप तें ओडपाक मेळना.

गुळेली वाठारांत म्हादय न्हंयेचेर आशिल्ल्या पाडेली गुळेली पुला लागसार उदक ओडपा खातीर पंप बसयल्यात. ह्या पंपाच्या आदारान उंचायेर बांदिल्ल्या दोन व्हड टांकयांनी उदक साठोवन ताचेर प्रक्रिया करून ताची गुळेली आनी सरभोंवतणच्या वाठारांत पुरवण करतात. कांय वर्सां आदीं ह्या वाठारांत दिसपट्टो उदकाचो प्रस्न सतायतालो. ताचेर उपाय म्हूण आनी ह्या वाठारांतल्या लोकांचे मागणे वयल्यान थळाव्या आमदारान आपल्या यत्नान हो प्रकल्प उबारिल्लो.

म्हादय न्हंयेचें उदक गांजे बांदाक लागून उप्पाट भरून उरता, पूण आतां या दिसांनी पावस पडपाक सुरवात जाल्ल्यान गांजेचो बांद उक्तो केला. ताका लागून उप्पाट भरिल्ली म्हादय न्हय सध्या तळाक पावल्या. हे खातीर गुळेली वाठारांत म्हादय न्हंयेदेगेर बसयिल्ल्या पंपा वरवीं उदक ओडप कठीण जालां. भौशीक बांदकाम खात्याच्या उदका विभाग जंय उदक आसा थंय चर खणून पंपाच्या पायपा मेरेन उदक हाडपाचो यत्न करपाक जाय. पूण सध्या तशी कसलीच हालचाल दिसना, ताका लागून आनीक कितले दीस गुळेलीच्या लोकांक उदका बगर काडचे पडटले, असो प्रस्न ह्या वाठारांतल्या लोकांनी उपस्थीत केला.

दोन दीस उदक नाशिल्ल्यान गुळेली वाठाराचे पंच अनील गावडे हांणी संबंदीत अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा केल्ली. पूण अजून जाय तशी हालचाल सुरू जाल्ल्याचें दिसना. धामशेचे पंच विनोद गांवकार हांणीय ह्या संबंदांत वासपूस केल्यार ताकाय फावोश्यो जापो दिवंक नाशिल्ल्याचें स्वता गांवकार हांणी सांगलें.

तळाक पाविल्लें म्हादय न्हंयेचें उदक आनी धडेर आशिल्लो पंप.

### अधिकाऱ्यांच्या घाळपणाचो लोकांक त्रास....

मे म्हयन्यांत भोवतेक पुराय गोंयांत उदकाचो प्रस्न उप्रासता. पूण गुळेली सारक्या वाठारांत म्हादय न्हंय उप्पाट भरिल्ली आसतना अधिकाऱ्यांच्या घाळपणाक लागून ह्या वाठारांत उदकाचो गंभीर प्रस्न उप्रासला. व्हड प्रकल्प उबारून जर ताचो फायदो लोकांक जायना जाल्यार ताचो कसलो फायदो? अधिकाऱ्यांच्या घाळपणाक लागून सामान्य लोकांक मात फुकटचो त्रास सोंसचो पडटा, अशें ह्या वाठारांतल्या लोकांनी म्हणलां.

## मस्ती काय नेणारपण....?

अटल सेतू पुलाचेर दुचाकी वाहनांक बंदी आसा. पूल सुरू जाता थंय तशी सुचोवणी दिवपी तकटे लायल्यात. तरी लेगीत कांय पर्यटक अटल सेतू वयल्यान वचपाचो धोको पत्करतात. ही तांची मस्ती काय नेणारपण हें कळपाक मार्ग ना, पूण पणजेच्या येरादारी विभागान खर मोहीम हातांत घेतल्या. शुक्रारा अटल सेतू पुला वयल्यान वचपी सुमार 20 दुचाकी चालकांक आडावन दंड दिलो. (नारायण पिसुर्लेकार)

## धारगळे घराक उजो; 80 हजारांचें लुकसाण

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पेडणें:** आरोबा धारगळे 27 मेक सांजे वेळार संतोष म्हापशेंकार हाच्या घराक उजो लागून सुमार 80 हजारांचें लुकसाण जालें.

उज्याची खबर उजो पालोवपी दळाक मेळटाच दळाचे सहाय्यक अधिकारी प्रशांत धारगळकार आनी ताचे जवान घडणुकेचे सुवातेचेर पावले. तांणी रोखड्या रोखडें उज्याचेर नियंत्रण मेळयलें.

घराच्या मागीर दारा उदक तापोवपा खातीर उजो पेटयिल्लो. तो सगळे कडेन पातळून घराक लागलो. उजो पालोवपी दळाच्या जवानांनी चार लाखां परत अदीक मोलाचो म्हालवज वाटायलो.

उजो पालोवपी दळाचे सहाय्यक अधिकारी प्रशांत धारगळकार, चालक रामदास परब तशेंच यशवंत नायक, केतन कामुलकार, मयूर नायक आनी धनंजय वस्त ह्या जवानांनी हे मोहिमेंत वांटो घेतिल्लो.

धारगळे घराक लागिल्लो उजो पालयतना उजो पालोवपी दळाचे जवान. (निवृत्ती शिरोडकार)

## ल्हान चलयांचेर लिंगीक अत्याचार

### दुबाविताक पांच दिसांची पुलीस कोठडी

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी:** आठ वर्सां पिरायेच्या दोगां चलयांचेर लिंगीक अत्याचार केल्ल्या प्रकरणांत पणजी पुलिसांनी तन्वीर अहमद (52, मूळ उत्तर प्रदेश) हाका बिरेस्तारा अटक केल्ली. अटक केल्ल्या दुबाविताक पणजेच्या प्रथमवर्ग न्यायालयान पांच दिसांची पुलीस कोठडी फर्मायल्या.

ह्या प्रकरणांत पिडेस्त चलयांच्या घरच्यांनी कागाळ केले उपरांत पणजी पुलिसांनी गुन्यांव दाखल केला. तातूंत पणजी पुलीस स्टेशनाचे शिमे भितर एका चिकन सेंटरांत कामाक आशिल्लो दुबावीत तन्वीर अहमद हाणें बिरेस्तारा दुकाना कडल्यान वचपी दोगां आठ वर्सां पिरायेच्या चलयांचेर लिंगीक अत्याचार केल्ल्याचें मुखार आयलें. ते उपरांत पुलीस निरिक्षक निखील पालयेंकार हांच्या मार्गदर्शना खाला महिला पुलीस उपनिरिक्षक लॉरीन सिक्वेरा हांणी दुबावीत तन्वीर अहमद हाचे आड गुन्यांव दाखल करून अटक केल्ली. अटक केले उपरांत शुक्रारा दुबाविताक पुलीस कोठडे खातीर पणजेच्या प्रथमवर्ग न्यायालयांत हाजीर केल्लो.

## पुलीस खात्यांतल्या ड्रायव्हराची आत्महत्त्या

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**दिवचल:** कोठंबी पाळी वाठारांतल्या विजय जयवंत परब (39) हाणें आपल्या घरांत पंख्याक गोळ घेवन आत्महत्त्या केली. सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण परब हो पुलीस खात्यांत ड्रायव्हर म्हूण काम करतालो.

परब हाच्या आत्महत्त्येचें कारण कळूंक ना. ताची कूड पोस्टमार्टमा खातीर बांबोळेच्या गोमॅकॉंत धाडल्या. पुलीस फुडलो तपास करता.

## बांबोळेचे गाडे सुरू करपाक परवानगी ना

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी:** बांबोळे फुटपाथाचेर आशिल्ल्या गाड्याकारांक काडून एक वर्स जायत आयलें. तरीय तांकां अजून नवें बांदून दिल्ले गाडे सुरू करपाक परवानगी दिवंक ना. ताका लागून त्या गाडेकारांक एका वर्सां सावन आपलो वेवसाय बंद करून बसचें पडलां. तांचे गाडे बेकायदो आशिल्ल्याचें थारावन जिल्होधिकाऱ्यान ते मातये भरवण केल्ले. ते उपरांत गाडेकार उपासाक बसले. आदले आमदार टोनी फर्नांडीस हांणी फुडाकार घेवन ह्या गाडेकारांक थंय परतूव नवे गाडे बांदून दिल्ले.

बांबोळेच्या फूटपाथा वयले गाडे काडल्यार जूनांत वर्स जातलें. आदीं वेंचणूक आयिल्ल्याचें कारण सांगून प्रक्रिया बंद केल्ली. आतां सगळे बांदून पुराय जाल्यात, पूण परवानगी दिवंक नाशिल्ल्यान ते बंद आसात.

हे संबंदान आमी भौशीक बांदकाम मंत्र्याक मेळटले, अशें गाडेकारांचें प्रतिनिधीत्व करपी डॉम्नीक परेरा हांणी सांगलें.

## संरक्षण मंत्री दिल्ली परतले

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**मुरगांव:** संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आपल्या दोन दिसांचें गोंय- कर्नाटक भोंवडे उपरांत शुक्रारा दनपारां आयएनएस हंसा ह्या नौदळ तळा वयल्यान खास विमानान दिल्ली गेले. शिश्टाचार मंत्री मॉवीन गुदिन्हो तांकां पावोवपाक आयिल्ले.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह बिरेस्तारा सांजे वेळार गोंयच्या दाबोली आयएनएस हंसा तळाचेर पाविल्ले. ते उपरांत ते कारवार आनी कोचीच्या भारताच्या मुखेल नौदळ तळाक भेट दिवचे खातीर गेले. तांणी कारवारांत तळाचेर भारतीय नौदळ जवानां कडेन संवाद सादलो. तशेंच कारवार नौदळ तळ आनी कोची नौदळ तळाक भेट दिवन भारतांतल्या पयल्या स्वदेशी बांदकामाचे उदरगतीचो नियाळ घेतलो.

मजगतीं, आपले दोन दिसांचे हे भोंवडे उपरांत संरक्षण मंत्री सिंह शुक्रारा दिल्ली वचपाक भायर सरले.

› पान 1 वयल्यान

## संजिवनींत साकरे बदला इथेनॉल

प्रकल्प स्थापन करपाचो प्रस्ताव आसा. देशात इथेनॉलाचो उणाव आसा. इथेनॉलाक मागणी आशिल्ल्या कारणान हो प्रकल्प परवडटलो अशी आस्त आसा. गाडयांच्या इंधनांत 20 टक्के इथेनॉल भेसळ करचें पडटा. देशांत सध्या फकत 8 टक्के इथेनॉल तयार जाता. 12 टक्के इथेनॉल आयात करचे पडटा. इथेनॉलाचे उत्पादन वाडोपाची संजिवनींत इथेनॉल तयार जाले काय गोंयच्या पेट्रोलीयम कंपनींक सोंपेंपणान इथेनॉल मेळटलें. तशेंच ऊस शेतकारांक ऊसाचे बेगीन पयशे मेळटले. वर्साक 50 हजार टन ऊस तयार करपाची गोंयच्या शेतकारांची तांक आसा. इथेनॉल प्रकल्पा खातीर भायल्यान थोडो ऊस हाडचो पडटलो. ऊसाची मागणी वाडली काय चडांत चड शेतकार ऊसाची शेतां करपाक लागतले. संजिवनीच्या बेभरवशाच्या कारभाराक लागून शेतकार ऊस रोवपाक पळयनात.

## दुबावीत डॉमनीक डिसोझाक जामीन मंजूर

घेतलो. डॉमनीकाक कागाळदार कृष्णा खोब्रेकार हांचे कागाळी प्रमाण दाखल केल्ल्या गुन्यांवांत अटक केल्ली. कागाळे प्रमाण हो गुन्यांव 2010 ते 2013 मजगतीं घडिल्लो. ह्या प्रकरणांत कागाळदारान बुधवारा 25वेर कागाळ दाखल केल्ली.

जाल्यार कागाळदार निखील शेट्ये हांचे कागाळी प्रमाण हो प्रकार फाटल्या 22 मे दिसा घडिल्लो. ते उपरांत तांणी 25वेर पुलिशेंत कागाळ दाखल करतकूच बिरेस्तारा 26वेर दुबाविता आड गुन्यांव दाखल केल्लो. दोनूय गुन्यांव समान आशिल्ल्यान दुबाविताक पयलीं एका गुन्यांवांत अटक केल्ली. दुसर्या गुन्यांवात अटक करपा खातीर दुबाविताक पुलिसां वतीन सीआरपीसी कलम 41 खाला नोटीस धाडून आपोवचें पडलें. जर दुबावीत हजर रावलो ना जाल्यार पुलिसांक ताका अटक करची पडटली.

मजगतीं, पुलिसांनी शुक्रारा ट्रोपवाडो सडयें शिवोली हांगासरल्या दुबाविताच्या फायव्ह पिलर्स चर्च ह्या घरा तशेंच ताच्या प्रार्थना थळाची झडटी घेवन पंचनामो केला. ह्या प्रकरणां संबंदीत कांय दस्तावेज पुलिसांनी जप्त केल्यात.

ह्या प्रकरणाचो फुडलो तपास पुलीस निरिक्षक परेश नायक हांच्या मार्गदर्शना खाला उपनिरिक्षक आशीश परब आनी गौरव नायक करतात.

# डॉमनीकाचे संपत्तीची चवकशी करची

## शैलेंद्र वेलिंगकार: लोक आतां फटींगपणां सोंसून घेवचे नात

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी:** धर्मांतरण प्रकरणांत अटक केल्लो शिवोलेचे फायव्ह पिलार चर्चीचो धर्मगुरू डॉमनीक डिसोझा तशेंच ताची घरकान्न जुआन मास्कारेन्हस हांचे गडगंज संपत्तीची चवकशी करची. तशेंच कायद्यान जितली जाता तितली खर ख्यास्त ह्या जोडप्याक दिवची, अशी मागणी शैलेंद्र वेलिंगकार हांणी शुक्रारा पणजे घेतिल्ले पत्रकार परिशदेंत केली.

डॉमनीक आनी जुआन हीं दोगांय गुन्यांवकारी फाटभुंयेची आसात. गरीब हिंदू लोकांक आपल्या जाळांत ओडून उपरांत तीं तांचें धर्मांतरण करतलीं. ताका लागून खूबशा हिंदू लोकांच्या घरांनी किजिलां जाल्यांत. खूबश्या लोकांनी आपल्या देवाच्यो मुर्ती, फोटो तशेंच तुळशी काडपाचो यत्न केलो. तांणी स्वता देव आशिल्ल्याचें सांगून लोकांचीं दुयेंसां बरीं करपाची फटीचीं आस्वासना दिलीं. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी घेतिल्लो हो निर्णय खुबूच बरो आसा. ताका लागून आमी मुख्यमंत्र्यांक परबीं दितात, अशें वेलिंगकार हांणी सांगलें.

डॉमनीक हो फाटलीं कितलीशींच वर्सां धर्मांतरण करतालो, पूण ताका कांय राजकी फुडाऱ्यांचो तेंको आशिल्ल्यान ताचे आड कोणेच कागाळ करूंक नाशिल्ली. अजुनूय कांय फुडारी ताका तेंको दितात, पूण आतां हिंदू समाज जागो जाला. हे फुडें ताचीं फटींगपणां लोक सोंसून घेवचे नात. ताची फटींगपणां लोकां मुखार आयल्यांत, अशें वेलिंगकार हांणी सांगलें.


**CLASSIFIED**

खाशेल्या शाळेखातीर 01 अंडर ग्रॅज्युएट टिचर बाल संगोपना जाग्यार जाय. बिएड (एमआर)/ डिएड (एमआर) सगल्यां प्रमाणपत्रां सयत लोकविश्वास प्रतिष्ठानची खाशेली शाळा, ढवळी गोंय हांगां 04/06/2022 सकाळी 10.30 वरांचेर मुलाखती खातीर हजर रावचे.

OFFICE OF THE VILLAGE PANCHAYAT RAIA, SALCETE – GOA 403720

Ref. No.V.P/R/2022-23/413
Date: 27/05/2022

**E-TENDER NOTICE**
**( E- Tendering Mode only)**

The office of Village Panchayat Raia Salcete Goa, invites online tender from approved and eligible contractors / agencies for the following work.

**NAME OF WORK & LOCATION**

1."Supply, installation & commissioning of 5000 ltrs compost plant for wet waste including installation of Bailing Machine" for V. P. Raia. Salcete Goa.

- The last date of online application, 02/06/22 upto 15.00 hrs
- The last of submission of tender is 06/06/22 upto 16.00 hrs.

The date & time of opening of online tender is 09/06/22 at 11.00 am in the office of the Sarpanch, Village Panchayat Raia Salcete Goa.
For Participation and other details visit on e-tendering website
**https://eprocure.goa.gov.in**

Sd/- Seal
(Minguelina D'Souza )
Sarpanch, V.P. Raia

गोंय सरकार
**भौशीक बांदकाम खातें**
**कामाचो विभाग XVIII (आर) पीडब्लूडी, फोंडा गोंय**
निविदा कळोवणी क्र: पीडब्लूडी- डीआयव्ही-XVIII (आर)/टेक/2022/ एफ-5 /06/2022-23 तारीख: 27/05/2022
1) ऑनलायन अर्ज मेळोवपाची आनी सादर करपाची निमाणी तारीख: 06/06/2022 दनपारां 3 मेरेन.
2) ऑनलायन निविदा उक्ती करपाची तारीख आनी वेळ: 08/06/2022 सकाळीं 10.30.
चड म्हायती खातीर भौशीक बांधकाम खातें कामाचो विभाग XVIII (आर) पीडब्लूडी, फोंडा गोंय हांगा संपर्क सादचो.
वेबसायट: https://eprocure.goa.gov.in
डीआय/एडिव्हिटी/406/2022
*मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात*

गोंय सरकार
**भौशीक बांधकाम खातें**
**कामाचो विभाग | इमारत**
**निविदा मागोवपाची कळोवणी ( ई निविदे वरवीं)**
क्र. पीडब्ल्युडी/ डब्ल्युडी |/एएसडब्ल्यु / एफ .24/2022-2023/38 ता: 27/05/2022
निविदा कळोवणी क्र. पीडब्ल्युडी/ डब्ल्युडी |/एएसडब्ल्यु-17 /2022-2023/12 ता: 27/05/2022
वेबसाईट: https://eprocuregoa.gov.in
निविदा मेळोवपाची आनी सादर करपाची निमाणी तारीख आनी वेळ : 02/06/2022 दनपारां 3 मेरेन
ई निविदा उक्ती करपाची तारीख आनी वेळ 03/06/2022 सकाळीं 11 वरांचेर. कार्यकारी अभियंत्यांचे कार्यालय,डब्ल्युडी| (इमारत) पीडब्ल्युडी पणजी गोंय.
चड म्हायती खातीर कार्यकारी अभियंत्यांचे कार्यालय,डब्ल्युडी| (इमारत) पीडब्ल्युडी पणजी गोंय. गोंय हांगा संपर्क सादचो.
डीआय/एडिव्हिटी/396/2022
*मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात*

गोंय सरकार
**पर्यटन खातें**
**पर्यटन भवन पाटो , पणजी, गोंय**
दूरध्वनी: 0832-2494200/17
ईमेल: deptooatourism@gmail.com
फॅक्स: 0832-2494227
वेबसायट: goatourism.gov.in

क्रमांक 4 / 1 ( 133 ) / 22 - डीटी / 506 तारीख : 26 मे 2022
**संक्षिप्त निविदा कळोवणी**
**(फक्त ई- निविदे वरवीं)**
**गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्या खातीर इव्हेंट मॅनेजमेंट आनी जायरात एजन्सीक पॅनलाचेर घेवप.**
गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्या खातीर इव्हेंट मॅनेजमेंट आनी जायरात एजन्सीक पॅनलाचेर घेवपा खातीर पर्यटन खातें इत्सुकां कडल्यान अर्ज मागयता. अर्ज करपाची इत्सा आशिल्ल्या एजन्सीनी निविदा कागदपत्रांत गरज आशिल्ली म्हायती दिवन आपले अर्ज सादर करूंक शकतात.
अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 29.06.2022 दिसा दनपारां 3.30 मेरेन आसा. तपशीलवार निविदा अधिसुचोवणे खातीर आनी वांटो घेवपा खातीर आमच्या ई-निविदा संकेतथळाक भेट दिवची https://eprocure.qoa.gov.in. निविदा कळोवणी www.goa-tourism.com चेरूय उपलब्ध आसा. सगळे प्रस्न pmu@goa- tourism.com ह्या ईमेलाचेर ईमेल करूं येतात.
डीआय/एडिव्हिटी/401/2022
*मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात*

**कुडचडें काकोडा नगरपालिका मंडळ**
**कुडचडें गोंय**
दूरध्वनी क्रमांक:-2650547 फॅक्स क्रमांक:- 2654168
ईमेल: - co-curchoremcmc.goa@nic.in
संकेतथळ: goaulbservice.gov.in
क्रमांक: सीसीएमसी/टेक-सेक/2022-23/678 तारीख:27 05/2022
**भौशीक कळोवणी**
कुडचडें काकोडा नगरपालिका मंडळाच्या 12/05/2022 दिसा जाल्ले सर्वसाधारण बसकेंत असो थाराव घेतिल्लो की ह्या पालिकेचे 15 य विभाग कोयर मुक्त (3 स्टार ) आसात, हे विशीं सगळ्या लोकांक कळीत करतात.
देखून, वयल्या घोशणापत्राचेर प्रतिसाद / हरकत आसल्यार जायरातीच्या तारखे सावन 15 दिसां भितर ह्या कार्यालयाक कळोवचें अशी विनंती भौसाक केल्या. कसलोच प्रतिसाद / हरकत मेळूंक ना जाल्यार, कुडचडें काकोडा शार कोयर मुक्त (3 स्टार) म्हूण मानून घेतले
सय/- विश्वास पी सावंत, नगराध्यक्ष
सय/- मनोहर एल कारेकार, मुख्य अधिकारी
कुडचडें काकोडा नगरपालिका मंडळ
कुडचडें गोंय
डीआय/एडिव्हिटी/405/2022
*मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात*

**निविदा कळोवणी**
गोंयच्या राज्यपालांचे वतीन कार्यकारी अभियंतो, विभाग XVII वीज खातें, म्हापशें बार्देस गोंय खाला दिल्ल्या कामां खातीर ऑनलायन निविदा मागयता.
निविदा 03 (22-23) आगरवाडो म्हापशेंच्या विभाग XVII खाला आशिल्ल्या उप विभाग III अधिकार क्षेत्रांत येवपी मांद्रें मतदारसंघाच्या आरोंदेकरवाडो हरमल हांगचें 100 केव्हीए डीटीसी वाडोवन 200 केव्हीए डीटीसी करुन ट्रांसफॉर्मर लोडिंग आनी कमी व्होल्टेज समस्या सोडोवप. हे वेबसाईटीचेर चड म्हायती आसा: https://eprocuregoa.gov.in
डीआय/एडिव्हिटी/403/2022
*मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात*

**मडगांव नगरपालिका**
**मडगांव-गोंय**
फोन क्र. (0832) 2735840,2714448
फॅक्स: 2730444
ईमेल: co.mmcmargao@gmail.com
वॅबसायट: goaulbservice.gov.in
क्र.01/274/2019-एडीएमएन/169 तारीख: 27/05/2022
सकयल दिल्लीं पदां भरपा खातीर मडगांव नगरपालिके वतीन मुख्य अधिकाऱ्यान अर्ज आमंत्रीत केल्यात:
ए) पदाचें नांव: स्वच्छ भारत मिशन-शार स म्हयन्यांच्या कालावधी खातीर पुर्णपणान कंत्राट पद्दतीच्या आदाराचेर लागू करपाक एसबीएम समन्वयक, जर गरज पडल्यार फुडल्या कालावधी खातीर वाडोवपाची शक्यताय आसा. म्हणल्यार, येवजण बंद जाय मेरेन नेमणुकीची तारीख हातूंतलें जें बेगीन आसतलें.
बी) पदाची संख्या: एक
सी) पगार: कसलेच भत्तो दिनासतना दरेक म्हयन्याक रु. 20,000/-
डी) शिक्षणीक पात्रताय: **गरजेची**
1.अभियांत्रिकी हातूंत पदविका.
2. कंप्युटर साक्षर आसपाक जाय.
3. कोंकणीचें गिन्यान
**इत्सीक:**
मराठीचें गिन्यान.
ई) पिराय मर्यादा: 45 वर्सां परस चड आसची न्हय
एफ) आरक्षण: राखीव ना.
अर्जदारांनी हो जायरात क्रमांक, अर्ज केल्ल्या पदाचें नांव, उमेदवाराचें पुराय नांव, पुराय निवासी पत्तो, जल्म तारीख, राष्ट्रीयताय, लींग, रोजगार नोंदणी क्रमांक, शिक्षणीक पात्रताय सयथ शिक्षणीक माध्याचो उल्लेख करीत आपलो अर्ज साद्या कागदाचेर सादर करचो. अर्जदारांनी प्रमाणपत्रांचीय प्रमाणीत प्रती सादर करची (ए) गुणपत्रिका आनी पास जाल्ल्या प्रमाणपत्रांच्या प्रती सयत शिक्षणीक पात्रताय, (बी) जल्म प्रमाणपत्र (सी) अणभव प्रमाणपत्र (डी) सक्षम प्राधिकरणान जारी केल्लें 15 वर्सां गोंयांतलें राबितो प्रमाणपत्र (ई) वैध रोजगार विनिमय नोंदणी कार्ड तातूंत नवीनतम नुतनीकरण आशिल्ली तारीख आशिल्लें आनी वेवस्थीत अद्ययावत केल्लें, (एफ) अर्जाचेर चिकटयल्लो उमेदवाराचो हालींचो पासपोर्ट आकाराचो फोटो (जी) मोबायल क्रमांक/लॅंडलायन क्रमांक (एच) बँक खात्याचो तपशील.
अटी पुर्ण करपी अर्जदारांनी 8 जून 2022 दिसा सांजवेळा 5.30 वरां मेरेन आपलो अर्ज मुख्य अधिकारी, मडगांव नगरपालिका कडेन सादर करचो. थारायिल्ले तारखे उपरांत खंयचोच अर्ज स्विकारचे नात आनी खंयच्याय गरजेच्या गरजेच्या प्रमाणपत्रां सयत समर्थीत नाशिल्लो अपूर्ण अर्ज सरसकट न्हयकारतले. फुडली कसलीच सुचोवणी दिनासतना आनी ताचें कसलेंच कारण सांगिनासतना भरती प्रक्रिया रद्द करपाचो अधिकार मडगांव नगरपालिका राखून दवरता.
सय/- (लिंडन फ्रॅंडी परेरा), नगराध्यक्ष, मडगांव नगरपालिका
सय/- (रोहीत कदम), मुख्य अधिकारी, मडगांव नगरपालिका
पळयलां
*मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.*

# नौदलाचें सामर्थ्य दाखोवन दिवपा खातीर आधुनिकीकरणाची गरज

## संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह: कारवार नौदल तळाची केली पळोवणी

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

झुजा बोटीतल्या उपकरणांची म्हायती घेतना संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह.

**कारवार:** संवसारीक सुरक्षा, शीम वाद आनी दर्या वर्चस्वाक लागून सैन्याच्या आधुनिकीकरणाची सामकी गरज आसा. देशांचे भूंये पसून चड अंतराचेर लेगीत अर्थीक आनी सामरीक हितसंबंद बळीश्ट करपाक जाय जाल्यार संवसाराक आमचें नौदलाचें सामर्थ्य दाखोवन दिवपाक जाय. ते खातीर ताचें आधुनिकीकरण करपाचे काम सरकारान हातांत घेतलां अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी सांगलें.

संसरक्षण मंत्र्यान कारवार हांगच्या आय एन एस कंदब नौदल तळाक भेट दिवन थंय सुरू आशिल्ल्या प्रकल्प कामाचो नियाळ घेतलो. ते उपरांत ते नौदळ कर्मचारी आनी अधिकाऱ्यां कडेन उलयताले. नौदलाच्या उदका पोंदच्या ऑपरेशनाची तयारी कशी सुरू आसा हाची तांणी पळोवणी केली. शुक्राराक पाणबुडींत बसून नौदल सैनिकां कडेन संवाद साधलो.

भारताक संवसारीक पांवड्यार आतां अजापान पळयतात. पयलीं भारताक संवसारीक पांवड्यार कोणूय गंभीरपणान घेनाशिल्लो. मात आज ती घेवची पडटा. ताका लागून भारता कडेन पळोवपाचो संवसाराचो दृश्टिकोन बदल्ला अशें राजनाथ सिंह हांणी सांगलें.

# बायलांचेर लिंगीक अत्याचार वाडपाक लागिल्ल्यान 'आपा'ची सरकाराचेर टिका

## बायल आयोग अध्यक्ष जून मेरेन नेमांत: नाजाल्यार आंदोलन: प्रतिमा कुतिन्हो

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी:** एप्रील आनी मे म्हयन्यांत आतां मेरेन बायलाचेर लिंगीक अत्याचार करपाचे आठ प्रकार घडल्यात. आम आदमी पक्षाच्या बायल फांट्याची अध्यक्ष प्रतिमा कुतिन्हो हे खातीर भाजपा सरकाराचेर खर टिका करून गुन्यांवकारी न्याय वेवस्था घटमूट करपाक आनी बायलां आडचे गुन्यांव कमी करपा खातीर वावुरपाचो सल्लो दिला.

राज्यांतलो बायल आयोग फाटल्या तीन म्हयन्यां सावन अध्यक्षा विणे आसा. भाजपान वेंचणूक जिखल्या उपरांत मंत्र्याचे सोपूत विधी कार्यावळीचेर कोट्यांनी रुपये खर्च केले. मात बायल आयोगाच्या अध्यक्षाची नेमणूक करपाक सरकार विसरलां अशें कुतिन्होन पत्रकारांक सांगले. जून मेरेन अध्यक्षाची नेमणूक केली ना जाल्यार आप बायल आनी भुरगी उदरगत खात्या सामकार आंदोलन करतलो अशी शिटकावणी कुतिन्होन दिल्या

सरकारान शाळांनी लिंगीक शिक्षण तशेंच सान भुरग्यांक फावो तें समुपदेशन करपाची वेवस्था करपाचें आम आदमी पक्षान सरकारा कडेन मागलां. फाटल्या म्हयन्यांतल्या एका सप्तकांत बायलांचेर लिंगीक अत्याचार करपाचीं तीन प्रकरणा जाल्लीं. मे म्हयन्यांत आतां मेरेन पांच प्रकरणाची नोंद जाल्या तरीय सरकार चलयो आनी बायलांची राखण करपा खातीर कसलीय उपाय येवजण करना असो आरोप तिणे केलो. बायलाचें सुरक्षे खाती सरकारान पिंक फोर्स सुरू केला आसतनाय बायलां आड गुन्यांव जायत आसात. सरकार तांची राखण करपाक अपेशी थारलां अशें पक्षाची उपाध्यक्ष सेसील रॉड्रिग्ज हिणे सांगलें.

# कोटपा कायद्याचें उल्लंघन केल्ल्यांचेर वास्को कारवाय

■ भांगरभूय | प्रतिनिधी

**वास्को:** मुरगांव तालुको अंमलबजावणी पंगडान वास्को शारांतल्या भाजीपालो मार्केटांत सिगरेट आनी हेर तंबाखूजन्य उत्पादन कायद्याचें (कोटपा) उल्लंघन चल्लां काय कितें हाची पळोवणी केली. ह्या कायद्यांतल्या कलम 4 आनी 6 (अ)च्या उल्लंघना खातीर पंगडान मार्केटातले फास्ट फूड, बार आनी किराणा दुकान धनयांचेर कारवाय करून तांचे कडल्यान दंडाच्या स्वरुपांत 2200 रुपये एकठांय केले.

कोटपा कायद्याचें उल्लंघन करपी दुकान धनयांनी ते अन्न आनी वखधां प्रशासना कडेन रजिस्टर आसात असो दावो केलो मात ते संबंदीचो तपशील तांणी दुकाना भायर लायलो नाशिल्लो. कोटपा खाला जाय त्या प्रमाण तांणी नो स्मोकींग हो सूचोवणी तक्टो लायलो नाशिल्लो. पंगड आपलो अहवाल दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी ज्योती कुमारी हांका सादर करतलो.

अंमलबजावणी पंगडाचे फुडारपण मुरगांव तालुक्याची जोड मामलेदार मारिया डिकॉस्ता हिणे केलें. पंगडांत गोवाकॅनचो समन्वयक रोलंड मार्टिन्स, सर्कल निरीक्षक विठू खरात, मुरगांवचो तलाठी जितेंद्र कामत, चिखली भलायकी केंद्राचो नितळसाण निरीक्षक दयानंद ठक्खर आनी पुलीस शिपाय मुकेश गावडे हांचो आसपाव आशिल्लो.

कोटपा कायद्याचें उंल्ल्घना आड कारवाय करतना मुरगांव तालुका अंमलबजावणी पंगड.

# घांटमाथ्यार रावपी गांवकार पयलेच फावट करतले हळदोणें कोमुनिदाद वेंचणुकेंत मतदान

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

हळदोण्यां आयिल्ले गाब्रियल आनी पावल डिसोझा प्लॉयड आनी हेरां वांगडा. (लुईस रॉड्रिगीस)

**बेळगांव:** बेळगांवच्या घाटमाथ्यार रावपी फ्रेटेनल दे हळदोणे कोमुनिदादचे गांवकार कोमुनिदादची वेवस्थापकीय समिती वेंचून काडपा खातीर आयतारा जावपी वेंचणुकेंत पयलेच फावट मतदान करतले. आजरा, गडहिंग्लज, बेळगांव आनी चंदगड वाठारांत रावपी हे गांवकार खास वेंचणुके खातीर हळदोण्या येवपाक लागल्यात.

घाटमाथ्यार रावपी ह्या मूळ गोंयकारांच्या पूर्वजांची जमीन हळदोणे कोमुनिदादींत आसा. गोंय मुक्ती पयलीं सावन हे गोंयकार घाटमाथ्यार रावतात तरी कोंकणी आनी आपली मूळ संस्कृती ते अजून विसरले नात. मात फाटल्या चार शतमानां सावन तांकां जमनीच्या हक्का पासून पयस दवोरलां.

हळदोणे कोमुनिदादच्या ह्या गांवकाराक पयलेच फावट हळदोणे कोमुनिदादचे लोकशाय प्रक्रियेंत वांटो घेवपाक मेळटलो. शाहू डिक्रुज (बार्देशकार) आनी ताचे तीन पिळगेचे प्रतिनिधी आयतारा मतदान करतले. आजराच्या वाटांगी गांवात रावपी गाब्रियल मिनिन डिसोझा आतां गोंयांत रावता आनी कोमुनिदाद वेवस्थापन समितीचो वांगडी म्हणून तो वेंचणूक लडयता. वाटांगीचो राजकारण अल्बर्टे डिसोझा हांणे आयतारेच वेंचणूकेंत मतदान करपाक आपल्याक खोस भोगता अशें सांगलें. फाटल्या पांच दशकां सावन हणदोणे कोमुनिदादचेर थोड्याचे लोकांचो शेक चलतालो. ताका लागून जायते गैर प्रकार जाल्यात. 8900 चौखण शेत जमीन फुटबॉल मैदान करपाक दिल्या. आतां आमी सगल्यो गजाली जाग्यार घालतले अशे फ्लॉयड डिसोझा हाणे सांगलें.


## गोंय राज्य शार उदरगत एजेन्सी (जीएसयूडीए)

(गोंय सरकाराचो उपक्रम)
6वो माळो, श्रमशक्ती भवन, पाटो प्लाझा,
पणजी-गोंय
फोन: 2437210 फॅक्स: 2437094

**निविदा कळोवणी (2रो कॉल)**
**(फक्त ई-निविदा पद्दतीन)**

फायल क्र. 43/3/जीएसयूडीए/ई-टॅण्डर/36/2022-23/329
तारीख:-27/05/2022

कामाचें नांव: **सोनसोडो हांगाच्या एमएसडब्ल्यू प्लांटांत राखणे वणत आनी कुशीक सायड वणत बांदप.**

अदमाशे खर्च: 1,27,45,115/-

ईएमडी: 2,54,905/-

ऑनलायन अर्ज करपाची निमाणी तारीख: 01/06/2022 दिसा 17.00 वरां मेरेन.

ह्या कार्यालयान ई-निविदा आमंत्रित केलां आनी सुचोवणी आमची वॅबसायट http://eprocure.goa.gov.in हाचेर उपलब्ध आसा वा निविदा कळोवणी कार्यालयाच्या नोटीस बोर्डाचेर पळोवपाक शकतात.

अदीक तपशिला खातीर वांगडी सचीव, जीएसयूडीए ह्या कार्यालयांत संपर्क सादचो.

**डीआय/एडिव्हिटी/397/2022**
**मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.**



## सांखळी नगरपालिका

सांखळी-गोंय
फॅक्स:-2365076 फोन क्र:-2364222
क्र. एसएमसी/एडीएमएन/एडीव्हीईआर/2022-23/397 तारीख: 25/05/2022

**जायरात**

सांखळी नगरपालिका मंडळा वतीन मुख्य अधिकाऱ्यान सकयल दिल्ल्या ट्युलीप अंतर्गत इंटर्नशीप कार्यावळी खातीर अर्ज आमंत्रीत करता.

| अनु. क्र. | पद | पात्रताय | पदाची संख्या | कालावधी |
|---|---|---|---|---|
| 1 | कनिश्ठ अभियंतो | पदविका सिव्हील | 2 | 12 म्हयने (पुर्ण वेळ) |
| 2 | लेखा सहाय्यक | बी.कॉम | 1 | 12 म्हयने (पुर्ण वेळ) |
| 3 | कार्यालयीन सहाय्यक | बी.कॉम | 1 | 12 म्हयने (पुर्ण वेळ) |

- इत्सूक उमेदवारांनी ट्युलीप पोर्टल **https://internship.aicte--india.org** चेर नोंदणी करची आनी सांखळी नगरपालिकेन जायरात केल्ले संबंदीत पदाचेर अर्ज करचो पडटलो.
- **ही इंटर्नशिप ही नोकरी न्हय वा यूएलबींत नोकरी मेळपाची खात्री न्हय.**
- **इंटर्नशीप खातीर स्टायपण्ड नगरपालिका निश्चीत करतली.**
- इंटर्नशीप येसस्वी रितीन पुर्ण केल्या उपरांत गृहनिर्माण आनी शार वेव्हार मंत्रालय, एआयसीटीई, राज्य सरकार आनी यूएलबी वरवीं जोडपणान जारी केल्लें डिजीटल सय केल्लें इंटर्नशीप प्रमाणपत्र दितले.
- कसलेय प्रस्न आसल्यार उमेदवारांनी आमकां co-sanquelimmc.goa@nic.in हे ईमेलीचेर ईमेल करपाक शकतात.
- **अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 10/06/2022.**

सय/-
**(कबीर के. शिरगांवकार)**
मुख्य अधिकारी
सांखळी नगरपालिका

**डीआय/एडिव्हिटी/399/2022**
**मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.**



## नेरुल ग्रामपंचायत

नेरूल, बार्देस गोंय 403114
फोन क्र: (0832)-2401979 ई मेल: vpnerul@gmail.com
संदर्भ क्र. व्हीपी/एनआरएल/22-23/338 तारीख: 25/05/2022

**निविदा आमंत्रण कळोवणी**

ग्रामपंचायत नेरूल बार्देस गोंयच्या सरपंचान, नेरूल ग्रामपंचायती वतीन पात्र आनी नामांकीत परवानो प्राप्त वीज कंत्राटदारां कडल्यान (श्रेणी V) आयकर कर क्लियरन्स/विक्री कर सयत फ्लॉवींग कामां खातीर अणभव प्रमाणपत्रा सयत सीलबंद निविदा आमंत्रीत करता. 10-06-2022 दिसा सकाळीं 10.30 वरां मेरेन राष्ट्रीयकृत बॅंकेंतल्यान ग्रामपंचायत नेरुल बार्देस गोंयच्या हाच्या नांवान डिमांड ड्राफ्टच्या स्वरुपांत ई.एम.डी सयत ह्या कार्यालयांत पावपाक जाय.

| अनु. क्र. | कामाचें नांव | अदमाशे खर्च | ई.एम.डी रुपयांनी | वेळ मर्यादा |
|---|---|---|---|---|
| 1 | सतीश आरोलकार घरा पसून गोकुळदास बाणावलीकार हाच्या घरा मेरेन पथदिव्या सयत 7.5 आरसीसी खांब्याची उबारणी. | 37896 | 758 | 30 दीस |
| 2 | सतीश कळंगूटकराच्या घरा कडेन 7.5 मीटर आरसीसी खांब्यांचें 2 नग उदय दाभोळकार हांगा स्थलांतरीत करप. | 82980 | 1660 | 30 दीस |
| 3. | सती देवळा कडल्यान फिलीपाच्या घरा मेरेन पथदिव्या सयत 7.5 आरसीसी खांब्याची उबारणी. | 39524 | 790 | 30 दीस |
| 4. | इबरूच्या घरा कडेन 7.5 मीटर आरसीसी खांब्यांचें 2 नग देविदास कळंगूटकाराच्या घरा कडेन स्थलांतरीत करप. | 83911 | 1678 | 30 दीस |
| 5 | फिरंगी भाट, नेरुळ बार्देस गोंय हांगा खांब्यां सयत 3 फेज 6 वायर एलटीची उबारणी | 134037 | 2680 | 30 दीस |

1. अर्ज फॉर्म 06/06/2022 दिसा दनपारच्या 1.00 वरां मेरेन.
2. निविदा फॉर्म तारीख 08/06/2022 दिसा सकाळीं 11.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन निविदा फॉर्म शुल्क रु. 500/- फारीक केल्यार जारी करतले जें परत मेळचे नात.
3. निविदा तारीख 10/06/2022 दिसा सकाळीं 11.00 वरांचेर ग्रामपंचायत नेरूल, बार्देस गोंय ह्या कार्यालयांत उगडटले.

**डीआय/एडिव्हिटी/398/2022**
**मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.**



## सांखळी नगरपालिका

सांखळी-गोंय
क्र. एसएमसी/टॅक/ई-टॅण्डर नोटीस/2022-23/391 तारीख: 25/05/2022

**ई-निविदा कळोवणी**
**(फक्त ई-निविदा आनी ई-पेमेंट पद्दतीन)**

मुख्य अधिकारी, सांखळी नगरपालिका हाणें सांखळी नगरपालिके वतीन उत्पादक/अधिकृत वितरक/विक्रेत्या कडल्यान ऑनलायन पद्दतीन टक्केवारी दर निविदा आमंत्रीत करता.

निविदा कळोवणी क्र.एसएमसी/टॅक/ई निविदा कळोवणी/2022-23/390 तारीख: 25/05/2022

तपशील सकयल दिल्ल्या प्रमाण:

निविदा ऑनलायन सादर करपाची निमाणी तारीख 16/06/2022 दिसा 15.00 वरां मेरेन.

ऑनलायन निविदा उगडपाची तारीख आनी वेळ 17/06/2022 दिसा 15.00 वरां मेरेन मुख्य अधिकारी, सांखळी नगरपालिका हाच्या कार्यालयांत.

**डीआय/एडिव्हिटी/400/2022**
**मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.**



## FR. AGNEL MULTIPURPOSE HIGHER SECONDARY SCHOOL AGNEL GANV, VERNA - GOA.

Invites applications from eligible candidates having valid registration with Employment Exchange, Goa, and Residence Certificate for filling up the following posts for the academic year 2022-2023.

| Sr. No. | No. of Post | Name of the Post | Type of Post | Educational Qualification |
|---|---|---|---|---|
| GENERAL STREAM | | | | |
| 1 | 01 | Tr. Gr. I in Physics | Regular Basis | M.Sc., B.Ed. (Physics) |
| 2 | 01 | Tr. Gr. I in Physics | Leacture Basis | M.Sc., B.Ed. (Physics) |
| 3 | 01 | Tr. Gr. I Chemistry | Regular Basis | M.Sc., B.Ed. (Chemistry) |
| 4 | 01 | Peon/Sweeper | Regular Basis | X Pass |

**Upper Age Limit: 40 years.**

Those already in service should forward their applications through Proper Channel. Other terms/conditions as laid down by the Education Department. Apply in own handwriting within 07 days from the date of publication with full details enclosing copies of Educational qualifications/testimonials etc. to The Manager, Fr. Agnel Multipurpose Higher Secondary School, Agnel Ganv, Verna - Goa.



## GOA UNIVERSITY
Estate Administration & Allied Services

**TENDER NOTICE (E-TENDERING MODE ONLY)**

**E-Tender Notification No. GU/EA&AS/351/2022-23/65** **Dated: 27/05 /2022**

The Registrar on behalf of Goa University invites online "Item Rate tender" from approved and eligible contractors registered in appropriate Class & Categories for the following work as under

| Sr. No | Name of the Work | Estimated cost | Class of Contractor |
|---|---|---|---|
| 1 | Fabrication and Erection of Bus Shelters for Goa University. | Rs. 28,92,690.00 (excluding all taxes and GST) | Class II & above (buildings) Goa state PWD / from specialized agencies |

**Last Date of Submission of online Tender : 09/06 /2022 up to 15.00hrs**
**Date and Time of Opening of Online Tender : 10/06/2022 after 11.00hrs**

The Earnest Money Deposit should be deposited along with the Tender in the appropriate Form as given in the detail Tender Notice. For details tender Notice please visit **https://eprocure.goa.gov.in**

**Sd/-**
**Registrar**
**Goa University**



## GOA UNIVERSITY
Estate Administration & Allied Services

**EXPRESSION OF INTEREST**

**GU/571/EA&AS/2022-23/67** **Dated: 27/05/2022**

Goa University intends to outsource the garbage collection and its treatment/re-cycling/disposal of dry/wet waste from its Campus in an environment friendly manner as a green initiative. Broadly the areas from where the dry/wet waste to be collected shall include 100 residential quarters, 8 canteens, 4 shops, 2 kiosks and 30 non-residential buildings spread over its campus.

The term of the waste management contract will be 36 months, extendable for further period of 24 months on the same terms and conditions and at the discretion of the University.

The contract will be on turnkey basis inclusive of labour, machinery, chemicals, tools, equipment's, vehicles, uniforms, protective suits, charges levied by waste management corporation or any authorized agency as approved by Goa Pollution Control Board for dry waste disposal, water and electricity charges etc.

The detailed scope of work and contract terms and conditions for waste management in the University Campus may be obtained from the Office of Assistant Engineer, Estate Administration and Allied Services during office hours on all working days. Letters of interest are invited from reputed agencies having experience of minimum two years in Aerobic Composting process and having sites of collection and Aerobic Composting of wet garbage of minimum 500Kg per day. The letters of interest should be submitted in two separate bids, Testimonials & Technical bid and Financial bid. The letter of interest along with detailed proposal addressed to Registrar, Goa University should reach this office latest by **16.00hrs on 13/06/2022.**

**Sd/-**
**(Prof V S Nadkarni)**
**REGISTRAR**

## मडगांव नगरपालिका

मडगांव-गोंय
फॅक्स: 2730444
फोन क्र. (0832) 2735840,2714448
ईमेल: co.mmcmargao@gmail.com
वॅबसायट: goaulbservice.gov.in
क्र. एमएमसी/टॅक/22-2023/569 तारीख: 26/05/2022

**भौशीक कळोवणी**

नगरपालिका घन कोयर (वेवस्थापन आनी हाताळणी) नेम 2016चे तरतुदी प्रमाण दरेक कुटुंबाची मुख्य जापसालदारकी आसा की तांणी स्वताचो कोयर उगम सुवातेर आशिल्लो (सुको आनी ओलो) वेगळो करून तो कोयर संग्रह वेळापत्रका प्रमाण नगरपालिका कोयर संग्रहकर्त्याक दिवप ही दरेका वैयक्तीक घराची मुखेल जापसालदारकी आसा. मडगाव नगरपालिकेन सगल्या 25 प्रभागांनी घराघरांनी वचून कोयर एकठांय करपाची सेवा दिल्या.

तथापी, कांय वैयक्तीक घरां आपलो घरगुती कोयर (सुको आनी ओलो) हातूंत वेगळो करपाक आडखळटात आनी ते असो मिश्र कोयर एकठांय करप्या कडेन दितात अशें कोयर एकठांय करपाच्या देखरेख करप्यांनी सकयल स्वाक्षरी केल्ल्या लोकांच्या नदरेक हाडलां.

हेर प्रकरणांनी हें लेगीत पळोवपांतं आयलां की मिश्र कोयर वेगळ्या आनी अनधिकृत सुवातेर उडयतात/विलो लायतात जाका लागून ब्लॅक स्पॉट जाता.

घराघरांनी वचून कोयर एकठांय करपाची सेवा दिवन आनी सामान्य लोकां मदीं जायते फावटीं जागृताय निर्माण करून आनी कोयर वेगळे करपा संबंदी परत परत सुचोवण्यो दिवन लेगीत साबार कुटुंबां आपलो कोयर वेगळो करपाक न्हयकार दितात (सुको आनी ओलो) ताका लागून नेमांचें उल्लंघन जाता हें नदरेक आयलां. नगरपालिका घन कोयर वेवस्थापन नेम 2016 आनी नगरपालिकेच्या घन कोयराचेर फुडली प्रक्रिया करपाक नगरपालिकेक आडखळ निर्माण जाता.

मडगांव नगरपालिकेन आतां हाचे कडेन गंभीरपणान लक्ष दिलां. जे लोक आपल्या घरांतलो कोयर (सुको आनी ओलो) वेगळो करिनात आनी असो मिश्र कोयर कोण ना अशे सुवातेर आनी अनधिकृत सुवातेर उडयतात तांकां दंड दिवपाचो निर्णय घेतला.

अशा उल्लंघन करपी आनी गुन्यांवकारांक गोंय बिगर जैवविघटनीय कोयर नियंत्रण कायदो 1998 च्या तरतुदी प्रमाण तात्काळ प्रभावीपणान 5000/- (फक्त पांच हजार रुपया) मेरेन दंडाची ख्यास्त दितले.

सय/-
**(रोहीत कदम)**
मुख्य अधिकारी
मडगांव नगरपालिका

**डीआय/एडिव्हिटी/402/2022**
**मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.**

# शिवोलेचो बाबा

मनशाक जीण जगतना साबार फावटीं अपेस येता. ताचेर संकश्टां कोसळटात. मागीर मानसिक ताण- तणाव. कांय वेळार तर लोक अंधश्रद्धेकूय वेंग मारतात. सगल्यां खातीर ती अंधश्रद्धा आसली, तरी ताचे खातीर तो आशेचो निमणो किरण आसता. डुबनेवाले को तिनके का सहारा ही बहुत..... अशें म्हणटात. खास करून भलायकेच्या संकश्टा वेळार त्या मनशाक कितें करूं आनी कितें नाका अशें जाता. तो सगले उपाय करता. तातूंत देवस्पणूय आसता. खंयच्या तरी घाडी- बाबा कडेन वचप आनी तो सांगता तें करप. बोला फुलाक गांठ पडली जाल्यार मागीर तो संबंदीत बाबा रातयां लोकप्रीय जाता आनी थंय उबें जाता एक व्हडलें प्रस्थ. तांकां वाठारांतल्या पयशेवाल्यांचो, राजकी फुडाऱ्यांचो आशिर्वाद मेळ्ळो काय मागीर विचारपाक नाका. दोन दिसां पयलीं शिवोलेच्या फायव्ह पिलर्स संस्थेचे पास्टर डॉमनीक डिसोझा हांकां अटक जाली. काल सांजवेळा तांकां जामीनूय मेळ्ळो. तांचेर धर्मांतर करतात, अशे साबार आरोप आसात. काल म्हापशें पुलिशेंत कागाळ करतकच तांकां अटक केली. तांची घरकान्न जोआन मास्कारेन्हासा आडूय गुन्यांव नोंद केला.

शिवोलेंतल्या सडयें वाठारांत डॉमनीक हांची फायव्ह पिलर्स क्रिश्चियन चर्च आसा. बिलिव्हर्स म्हणटात तो होच पंथ खंय. फाटलीं 30-35 वर्सां शिवोले हे खातीर लोकप्रीय आसा. कारण थंय गेल्यार दुयेंसां ना जातात, असो लोकांचो भावार्थ. हे चर्चीचे व्हिडिओ आसात. थंय वचपी शेंकड्यांनी भक्त तकले वयर हात हालयत धर्मिक प्रार्थना म्हणटात. दुसरे एके कार्यवळींत धर्मगुरू भक्तांच्या कपलाक कितें तरी लायता आनी ते लायटीचो शॉक लागिल्ले भशेन आड्डत, हातवारे करीत बेशुद्ध पडटात. हो हिप्नोटिझम, मास हिस्टेरियाचो एक प्रकार अशें अभ्यासकाचें म्हणणें. थंय वचपी चडशे हिंदू खंय. भेस हिंदूंचो आशिल्ल्यो कांय बायलो मराठींत बरयिल्लीं येशूचीं स्तोत्रां वाचतना पळोवंक मेळटात. तातूंत थंय वचून बरो जाल्लो दुयेंती आसल्यार तो हेरांक घेवन वताच. हे चर्चीचो तोंडी प्रचार खूब जाला. धर्मांतराचे प्रकार डॉमनीक आनी तांचे वांगडी करतात, असो आरोप कागाळ करप्यांनी पुराव्यां सयत केला, अशें पुलीस म्हणटात. म्हणटकच फुडल्या कांय दिसांनी तांचे कारवायेक वेग येतलो अशें धरून चलुया.

**फक्त हिंदूच न्हय, तर बऱ्याच क्रिस्तांवांचोय फायव्ह पिलर्साक विरोध आसा. लावडस्पीकर लावन प्रार्थना म्हणिल्ल्यान आमचे प्रार्थनेक आडखळ येता, असो दावो करीत णव वर्सां पयलीं थंय निदर्शनांय जाल्लीं.**

गोंयांतल्या हिंदुत्वमोगी लोकांचो फायव्ह पिलर्स चर्चीक पयलीं सावन विरोध आशिल्लोच. तांच्या मतान शिवोलेच्या बाबान साबार हिंदूंचीं धर्मांतरां केल्यांत. न्यायालयांत हो दावो सिद्ध करपाक आतां सगल्यांक पुरावे दिवचे पडटले. तेवटेन आमी धर्मांतर करीनात. तर हिंदू लोक आपूण जावन आमचे कडेन येतात, असो फायव्ह पिलर्सचो दावो. थंय वचपी लोकांनी देवधर्म सोडला, दारांतली तुळस पसून काडल्या, अशें चर्चीचे विरोधक सांगतात.

फक्त हिंदूच न्हय, तर बऱ्याच क्रिस्तांवांचोय फायव्ह पिलर्साक विरोध आसा. लावडस्पीकर लावन प्रार्थना म्हणिल्ल्यान आमचे प्रार्थनेक आडखळ येता, असो दावो करीत णव वर्सां पयलीं थंय निदर्शनांय जाल्लीं. फायव्ह पिलर्स आतां फक्त शिवोले पुरती उरूंक ना. तर राज्यभरांत तांच्यो कार्यावळी जातात. त्योय लोकांचे गर्दैत. लावड स्पीकर लायिल्ल्यान हो आवाज सरभोंवतणी पावता. वास्तविक देवाक उलो मारतना लावडस्पीकराची गरज ना. सर्वोच्च न्यायालयान रातीं 10 ते सकाळीं 6 मेरेन व्हडलो आवाज करचो न्हय, असो आदेश काडला. (तो कोण पाळीनात ही गजाल वेगळी. ) ते प्रमाण मशिदीं वयले आनी देवळां वयले लावडस्पीकर काडल्यात. आतां फायव्ह पिलर्स चर्च कितें करता तें पळोवचें पडटलें.

धर्मांतर बंदी कायद्याचेर देश स्वतंत्र जायत सावन भासाभास चलता. संविधानान हिंदू, ख्रिश्चन, मुस्लिम आनी शीख हे धर्म मान्य केल्यात. तांकां आनी हेरांकूय प्रार्थना करपाक, त्या धर्माचें पालन करपाचें स्वातंत्र्य दिलां. कोणाक जाय जाल्यार धर्म बदलपाची मेकळीक आसा. मात अडचणींत आयिल्ल्या, गरीब, बेकार लोकांक हांयस दाखोवन तांचो धर्म बदलपाचे प्रकार घडल्यात म्हूण हिंदुत्वमोगी धर्मांतर बंदी कायदो हाडपाक सोदतात. देशांतल्या कांय राज्यांनी तो लागूय जाला. धर्म हो नाजूक प्रस्न. फट करून सुपारी फुटची, तशी कसल्याय कारणां वयल्यान हिंसा घडोवन हाडपाची शक्त तातूंत आसा, हें आमकां भारतीयांक वेगळें सांगपाक नाका. तेन्ना ते विशींचीं प्रकरणां सांबाळून हाताळचीं पडटलीं.

## जाणांत तुमी ?

### म्हारगो च्या

**संवसारांत कांय गजाली खूब म्हारग आसात. मात त्यो विकत घेवपी** लोक आसात. म्हणटकच त्या वस्तूंचें मोल पळोवन आमी कोणाक स्राप सोडपाक जायना वा नाक मुडूंक जायना. हातूंतल्यो कांय वस्तू सर्वसामान्य लोक घेतात, तसल्योय आसतात. आतां हेंच पळयात भारताचें राष्ट्रीय पेय, च्या. तें घेवपाक वेळ- काळ लागना. खंयच्या वेळार च्या घेवपी भारतीय आसात. आतां ताचें व्यसनूच कांय लोकांक लागलां. नाजाल्यार काम जायना. असोच एक च्या चीनांत तयार करतात. ताचें मोल खूब. धाकटुलें पाकिट घेतल्या 10 हजार डॉलर मोडचे पडटात. एक डॉलर म्हणल्यार आमचे 77 रुपया.

हे च्याचें नांव आसा दाहुंग पाओ. (Da Hong Pao) सामान्य लोकांनी फक्त तो हुंगून म्हणल्यार वास घेवन पळोवपाचो. संवसारांतलो हो सगल्यांत म्हारग च्या. भांगराच्या मोला परस तो तीस पटीन म्हारग. तरीय कांय लोक तो पितात. दाहुंग पाओ हें च्याचें झाड सामकें दुर्मीळ. तें वाडोवपाक खूब कश्ट करचे पडटात. साबार वर्सां पयलीं चीनांत च्याचें उत्पादन करपी शेतकार वसंत ऋतूंत दोंगराचेर वचून च्या खातीर पूजा करताले. त्या कश्टचें फळ म्हणल्यार हो दाहुंग पाओ च्या अशें मानतात.

तो तयार करपाक 80 वर्सां लागतात. म्हणजे च्या न्हय, तर च्याचो पावडर. च्यावेच्या पानांक बोकडेच्या दुदांत धुंवतात आनी मागीर ती शिजोवन सुकयतात. ह्या च्याक लागून साबार दुयेंसां सोंपतात, अशें चीनी लोकांचें म्हणणें. मात ते खातीर तीं दाहुंग पाओ च्याचीं पानां सामकीं अस्सल आसपाक जाय. मींग शासनाच्या काळांत महाराणी दुयेंत पडिल्ली. त्यावेळर तिका ह्या च्यान बरी केली. तेन्ना पासून राजान ह्या च्याचीं शेतां लावपाचे आदेश दिलो. मात पुराय संवसारांत सध्या ह्या च्याचीं फक्त 6 (स) झाडां आसात.

# रिणांनी खांकनवाळ, लोकशायेंत अपंगूळ दक्षीण आशिया

## होमखण

फाटल्या देड वर्सा भितर दक्षीण आशियेच्या पांच देशांनी वेंचणुके बगर सत्तांतरां जाल्यांत. वाठाराची सुरक्षा, राजकी स्थीरता आनी भारताचे विदेश निर्तीत हे बदल खूब म्हत्वाचे. नेपाळांत थंयच्या सर्वोच्च न्यायालयाच्या हस्तक्षेपांत ओली सरकार वचून देवभा सरकार आयलें (जुलय, 2021), अफगाणीस्थानांत नागरी सरकार वचून तालिबानान देशाचो ताबो घेतलो (ऑगस्ट, 2021), बर्मांत आंग सांग सूची हिचें लोकशाय प्रणीत सरकार वडोवन लस्करी जुंटा आयली (फेब्रुवारी, 2021), पाकिस्तानांत इम्रान खानाचें सरकार अल्पमतांत येवन शहबाज शरिफ सरकार अधिकारांत आयलें (एप्रिल, 2022) आनी हालींच श्रीलंकेंत प्रधानमंत्री महिंदा राजपक्षेक राजिनामो दिवचो पडलो आनी रणील विक्रमसिंगे ह्या बेटा वयल्या देशाचे प्रधानमंत्री जाले (मे, 2022).

पुराय दक्षीण आशिया तिरंगी आर्थीक आव्हानांतल्यान वता. कोविडाची महामारी, जागतीक आर्थीक मंदी आनी युक्रेन- रशिया झूजा खातीर देशाक लागपी खाद्य आनी उर्जेची स्रोतां आंवूळपाक लागल्यांत, म्हारगाय वाडल्या, विदेशी गुंतवणूक ठप्प जाल्या आनी देशांचे देश रिणांनी खांकनवाळ जायत आसात. भारतूय आपल्या अंतर्गत समस्येंतल्यान वता. पूण शेजाराक जाल्ले हे मोठे बदल देशाच्या विदेश निर्तीतल्या आकलनांतल्यान सुटपाक जायना.

श्रीलंका आनी पाकिस्तानांत जे परिस्थीती खातीर अर्थीक आपातकाल आयलो, त्या कारणांनी बरेंच साम्य आसा. ताची फाटभूंय समजूपाक थोडें जागतीक राजकीय अर्थकारणाचें आकलन समजूचें पडटलें. सोविएताचें विघटन जाले उपरांत अर्थीक राजकारण म्हळ्यार पॉलिटीकल इकोनॉमीचें मोठे गतीन बाजारीकरण आनी उदात्तीकरण जालें. 1971 सालांत अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष रिचर्ड निक्सन हार्णी एकतर्फी गोल्ड स्टेंडर्ड मुद्रा वेवस्था बरखास्त करून फियेट मुद्रा वेवस्था आपणायली. सोंपे भाशेन सांगपाचें जाल्यार चलनांचो दर भांगराच्या दराक समर्पक आशिल्लो. फियेट मुद्रा वेवस्थेंत चलनाचो दर राज्याचे विदेश गुंतवणुकीचेर थारपाक लागलो.... आनी अमेरिका ही बळीश्ट विदेशी बाजार आशिल्यान सहज डॉलर हें आंतरराश्ट्रीय चलन जालें. सोविएत वेवस्था कोसळले उपरांत डॉलराचें जागतिकीकरण जालें.

ह्या एकतर्फी आर्थीक वेवस्थेचे परिस्थितींत विकासशील देशांक विदेशी चलनांची गरज भासपाक लागली. ते खातीर ब्रेटन बूड वेवस्थेंत तयार जाल्यो संस्था म्हळ्यार आंतराश्ट्रीय मुद्रा कोष आनी जागतीक बँक ह्यो दोन म्हत्वाच्यो संस्था ह्या देशांक रिणां दिवपाक लागल्यो. 1990 पयलींय रिणां दिताल्यो, पूण तेन्ना सोविएताची परस्पर आर्थीक वेवस्था आशिल्यान तांचे परिणाम लाटीन अमेरीका देश सोडल्यार हेर वाठारांनी दिसून येनाशिल्ले. हे वेवस्थेचो एक उद्देश आसता तो म्हळ्यार विदेशी चलन ह्या देशांक रिण म्हूण दिवप आनी तांच्या अर्थीक वेवस्थेंत बाजारीकरण, खाजगीकरण आनी जागतिकीकरणांची वेवस्था रूजोवप. जेन्ना आंतराश्ट्रीय मुद्रा कोश रिण दिता तेन्ना ताच्या घटनेतल्या चार कलमांतल्यान तो देशाचेर कांय बंदना घालता. ताका स्ट्रक्चरल एडजस्टमेंट लोन म्हण्टा. रिण फारीक करूंक म्हारगाय नियंत्रणांत दवरपाक जाय. ते खातीर खारजी आस्थापनांक कराची सुट आनी सरकारी खर्चाचेर कातर. देखून सरकाराचें कल्याणकारी उपक्रम आवूळटात. आनी हाचेच पडसाद पाकिस्तानात पळोवपाक मेळ्ळे.

पकिस्तान सतत विदेशी मदतीचेर पोसत आयला, पूण अर्थीक कारणां खातीर सत्तांतर जावप हें पाकिस्तानांत पयले फावट घडलां. पूण, श्रीलंकेचे सत्तांतर हें जगा खातीर धपको आशिल्लो. एका काळार श्रीलंकेची आर्थीक बिंदू भारताचे केरळ आनी तामीळनाडू राज्यां परस बरे आशिल्ले. पूण जेन्नाच्यान श्रीलंके भितर नागरी झूज सुरू जालें तेन्ना देशाची घडी बसोवपाक विदेशी गुंतवणूकीची गरज पडली. 2010 वर्सा राजपक्षे सरकारान तमीळ इलमाचेर जैत जाहीर केलें. आतांचें अध्यक्ष आनी महिंदा राजपक्षेचें भाव गोटबाय राजपक्षे तेन्ना सरकारा भितर सुरक्षा सचिव आशिल्ले. जरीय राजपक्षेन म्हणिल्लें हें झूज इलमाच्या विरोधांत, तमीळांच्या विरोधांत न्हय. तरीय राजपक्षेक समजल्लें, नागरी राश्ट्रवादा परस संस्कृतीक राश्ट्रवाद हो तांका लोकप्रियतेच्या तेंगशेर पावयतलो. ते आंतरराश्ट्रीय मुद्रा कोशाच्या बंदनांचेर आडनदर करीत सरकारी खर्च वाडयत गेले आनी सिंहला राश्ट्रवादाक नवी चालना दिली. लोक राजपक्षेक देव समजूपाक लागले. राजकीय भोवसंख्यवाद आनी आर्थीक लोकप्रियतावादाचें नवें रसायन राजपक्षेन श्रीलंकेत हाडलें.

**जरीय राजपक्षेन म्हणिल्लें हें झूज इलमाच्या विरोधांत, तमीळांच्या विरोधांत न्हय. तरीय राजपक्षेक समजल्लें, नागरी राश्ट्रवादा परस संस्कृतीक राश्ट्रवाद हो तांका लोकप्रियतेच्या तेंगशेर पावयतलो.**

नेम बागोवन आनी देशाचें राश्ट्रीय चारित्र बदलून एकाधिकारशाय फांफसता तेन्ना ताका आपलीं राजकीय उद्दिश्टां साद्य करपाक गरज आसता आंतराश्ट्रीय मान्यताय. तेन्ना अमेरिका, येवरोप आनी पश्चिमी शक्तींक खूश करपाक गोटाबाया सरकारान 100 % सेंद्रीय शेतीची घोशणां केली. उदारमतवादी जग श्रीलंकेची तोखणाय करपाक लागलें आनी गोटाबाया राजवटीक जागतीक मान्यताय मेळ्ळी. पूण ह्या एका निर्णयान श्रीलंकेच्या खाद्य सुरक्षेचो कणोच मोडलो आनी पुराय शेती उद्देग विस्थापीत जालो. शेतकार कर्जबाजारी, सेंद्रीय खतांचो उणाव आनी नवे रोग बेटाचेर फांफसले.

महिंदा राजपक्षाचो चलो आनी सरकारांत खेळा मंत्री आशिल्ल्या नमाल राजपक्षेन हंबलटोटा शारांत हाय इंट्रेस्ट रिणां घेवन साबार खेळा सुविधा उबारल्यो. पश्चिमी जगाक खुश करपाक श्रीलंका कॉमनवेल्थ खेळ आयोजनांची पावणी हाडूंक सोदतालें. पूण कसलेंच नियोजन नासतना उबारिल्ल्या ह्या साधन सुविधांनी श्रीलंकेक आनीक खांकनवाळ केली.

2000 वर्साच्यान वट्ट सोळा फावटी श्रीलंकेन मुद्रा कोशा कडें रिण फेडपाचे पद्दतीन सुधार करपांत मदत मागिल्ली. मुद्रा कोशान दिल्ले १६ तले फक्त ९ कार्यक्रम श्रीलंकेन पुराय केल्यात. जे पद्दतीन राजपक्षे भावांनी श्रीलंकेच्या संविधानीक बांदवळ बदलून देशाचें चारित्र बदपाचो यत्न केलो ताचें पानवळ आयज हो देश भोगता. एका काळार महिंदा राजपक्षेची व्यक्तीपूजा करपी ह्या देशाची जनता. आयज तेच जनतेन राजपक्षेचेर जीव आसल्यार भीक मागून खायन, ही परिस्थिती हाडल्या.

संसदेत रणील विक्रमसिंगे हे तांच्या पक्षाचे एकमेव खासदार. आयज तांकां नाइलाजान प्रधानमंत्री जावचें पडलां. ताचें कारण ह्या कठीण वेळार खंयचोच राजकारणी देशाचीं सुत्रां हातांत घेवपाक तयार ना.

**युगांक नायक**
**7507388596**

## सालांत

# एकूच कप, "च्या" चो

आमचे दिसपट्टे जिणेंत आमी तरेतरेची पिवणां पितात. थंड जावं गरम दिसभर कितें ना कितें पीत आसताच. पूण च्याचो जागो कोणूच घेवंक शकना. मनशाक तरतरी हाडपी हें पिवण. च्या ना म्हळ्यार जिणेचो एक भाग ना अशे हांव म्हणन. खूप जाणांचो दीस च्या बगर सुरु जायना. च्या म्हळ्यार आळशीपणा धांवडावपाचें एक साधन. जसो मोबाईलाक चार्जर जाय पडटा, तसो आमकां चार्ज करपी चार्जर म्हळ्यार च्या.

काय जाणाचो दीस च्या न सुरु जालोना जाल्यार तो दीस वाट लागलोच म्हूण समजूपाचें. सकाळचें नित्यकर्म च्या ना जाल्यार काय जाणाचें सुरु जायना खंय. काय जाणाक तर च्या चें व्यसनूचं आसता. बेबद्याक सोरो तर बऱ्या मनशाक च्याचो घोस्त. खूप जाणाक सकाळची च्या वेळार मेळ्ळीना जाल्यार तकली फोडपाचो त्रास सुरु जालो, म्हूण समजुपाचे. कितलो म्हत्वाचो घटक पळयात ही च्या.

च्या म्हळ्यार काय जाणाक वखद कशें. हे लोक खंयुय वचूं च्याची फाट सोडपाक ना. कामाक वतना मागीर थर्मास भरून भरून च्या पिवप वा मारप. मारप म्हळ्यार च्या पिवप. काय जाण अशेच उलयतात, " एक च्या मारया मरे हॉटेलान". हांगा च्या मारप म्हळ्यार च्या पिवप कोणाच्या तोंडार च्या मारप न्ही. खूबजाणांक ह्या उतराचें अजाप दिसता. आमची कोंकणी भासूच तशी मजेशीर. मागीर आमी ताची मजा घेत उलोवंक जाय.

**जेवण उसरां जाल्यार जाता, च्या मात वेळार जाय. मागीर ताचे वांगडा खाणांय खावपाचो बेत. अशे करून तानेर तान चालूच आनी च्याची मागणी सुरूच.**

खूप जाणांक च्या म्हळ्यार अमृत थारता. चड करून थंडी जाली वा तकली दुखता, जिवाक बरें दिसना ना जाल्यार उपासाच्या वेळार च्याक चडूच मागणी म्हणपाची. थंडी जाता तेन्ना च्याचो एक घोट म्हळ्यार आहा हा हा... अमृतूच म्हणपाचे. च्या भितर सुद्दा व्हरायटी म्हळ्यार प्रकार लोकांनी आपणायल्या. ग्रीन टी, ब्लॅक टी, फुटी च्या,रोज टी म्हळ्यार च्या भितर गुलाबांच्यो पाखळ्यो घालून मेळटा तो च्या पालो वापरून केल्ली च्या, कडक च्या, स्पेशल च्या, कारेगाद च्या, दुदाची च्या, गंजन घालून च्या, आल्याची च्या, वेलची घालून च्या , डायबेटिस जाल्यांक बिन साकरेची च्या तशेच गोंयाभायर गेल्यार टपरीवाली च्या, तंदूरी च्या, मसाला च्या, कटींग च्या, आनी खूप कितें प्रकार आमका च्याचें आयकूक तशेच पळोवपाकुय मेळटात.

कॉफी आसू वा हेर पिवणां, पूण च्या ती च्या. तिचो जागो कोण घेवंक शकना. श्रावण लागी पावलो काय रोखडीच येता चवथ. मागीर तर फकत च्या चो प्रोग्राम म्हणपाचो. परबांक सगलीं एकठांय जमलीं काय च्याक चड व्हालोर आयलो म्हणपाचो. सकाळ जावं सांज च्याचे प्रोग्राम चालूच. जेवण उसरां जाल्यार जाता, च्या मात वेळार जाय. मागीर ताचे वांगडा खाणांय खावपाचो बेत. अशे करून तानेर तान चालूच आनी च्याची मागणी सुरूच. चवथी वेळार काम करून बायलां इतलीं थकतात की एक घोट च्याचो म्हळ्यार एक घोट जिंदगी का अशें म्हणपाचें.

काय जाणाक रातचें काम आसता तांकां ही च्या बरे तरेन काम करपाक खूब आदार दिता. कामाच्या वेळार लकणी आयल्यार बस एक घुंट काफी है, न्हीद सामकी धांवून वता. परिक्षेक अभ्यासा खातीर रातपाळी मारपी भुरगे सुद्दां च्या पीत पीत रातचो अभ्यास करतात. रातचे प्रवास करपी खास करून म्हालगाडयांचे ड्रायव्हर तांकां च्याचोच आदार. नाजाल्यार लकणी येवन अपघात.

जाणटीं जांव नेणटीं सगळ्यांकूच घोस्त च्याचो. च्या करप ही सुद्दा एक कला. ती सगळ्यांकूच बरी जमता अशें ना. काय बायलांच्या हातची च्या पिल्यार अशें दिसता की पीत रावचें. पियात आनी पीत रावात, पूण चडूय न्ही की मागीर भलायकीच पिड्यार जातली. "दर एका घोटान स्वाद भरला च्याचो, मजा घेवन पिल्यार विसर पडटलो सगल्या जगाचो".

**शिल्पा लाड**
**8411007204**

## म्होंवा बोट

### मास्का बगर

*सरकारान तोंडाचें मास्क देवयात आनी दोन वर्सां कुटुंच्यो करून राविल्लें आपलें मुखामळ दाखयात म्हूण ओर्द दिली, त्या बरोबर खाडकेर हुमकळटालें तें मास्क रोखडेंच लोकानी देवयलें. अद्यांनी पयलींच उदकांत सोडिल्लें तें जालेंच. ज्या लोकांनी कोवीडा वेळार मास्क वापरलें ना फक्त वाद घालो, तांका आतां तें घालपाचे दुवाळेशे लागल्यात. आंसु, घरांत हाडिल्लीं आसात तीं सोंपयसर घालतलें. मास्का भितर एक-एक संवयो विचित्र लागल्यो त्यो आतां वाटेर येतना-वतना कळटात. कोण पदांचो सुर लायता, कोण नाकाक जिबली लावन स्कुटर चलयता, कोण जिबे पोतार बोमाडे काडुन वाऱ्यार सोडटा, कोण आपलेच धुंदेंत हांसता तर काय जाण मिशो वेवस्थीत कापनासतना भोवताले ते अजून तोंडान पाविल्ल्यो मिशो दातांनी तोडटात. थोड्यांक मास्क चिमटेक धरून परत-परत वयर काडपाची संवंय जाल्ली, तीं अजून तीच कसरत करतात. लिपस्टीकेक परते बरे दीस आयले. बाजारांत तरांतरांची मास्कां आयलीं. दादल्यां परस आमी बांयलानी चड प्रमाणांत फॅशन कशी तीं वापरलीं. सगळ्याक मॅचींग, नाकांत नथ मेरेन मास्कांतल्यान लाटयली. ह्या बोवाळांत खरो सुशेग मेळ्ळो तो बाबड्या कानाक, खुप सोसलें ताणें. पुण एक, मास्क घालून कोणाकुय हटकीनासतना कुस मारूंक मेळटाली ती आतां चुकली. थोबडो परत उक्ताडार पडलो. तरी आमी मास्क सामकेंच सोडून दिवचें न्हीं, गर्दी आसा थंय तरी घालुयाच. स्व:ताच्या भल्या खातीर.*

**शांतन पावसे**
**9423835358**

■ **मुद्रक आनी प्रकाशक प्रमोद आचार्य** हांणी प्रुडंट मिडिया (गोवा) प्रा.लि. गोंय हांचे वतीन हें पत्र एलेगंट ऑफसेट प्रिंटर्स प्रा. लिमिटेड, प्लॉट नं. **2-3-4**, थिवी इंडस्ट्रीयल इस्टेट करासवाडो, म्हापशें-गोंय हे सुवातेर **छापून** दुसरो माळो, फोर्थ इस्टेट (कामत मॅट्रोपोलीस) सांत इनेज, पणजी-गोंय हांगां **प्रकाशीत** केलें.

■ **संपादक: महेश महादेव दिवेकार** (पीआरबी कायद्या खाला संपादकी जबाबदारी)
■ **पणजी कचेरी:** दुसरो माळो, फोर्थ इस्टेट (कामत मॅट्रोपोलीस) सांत इनेज, पणजी-गोंय हे सुवातेर उजवाडायलें. फोन नं. **2405952**.

■ **ई-मेल: bhaangarbhuin@gmail.com** (बातम्या खातीर) **bhaangarbhuineditorial@gmail.com /** (लेख आनी साहित्या खातीर ) **/ bhaangarbhuinadvt@gmail.com** (जायरातीं खातीर). ■ **सुचोवणी :** अंकात व्यक्त जावपी मतां कडेन संपादक-प्रकाशक-मालक सहमत आसतलेच अशें ना. मजकुराची जापसालदारकी बरोवपी- जायरातदार हांची आसतली.

# मांद्रें मतदारसंघ शारीकरणाचे दिकेन

## साधनसुविधा उबारपाची गरज, आमदारान लक्ष घालपाची मागणी

■ भांगरभूंय | बातमीदार

**हरमल :** मांद्रें मतदारसंघ शारीकरणा वटेन चालीक लागिल्ल्यान ह्या वाठाराक सध्या स्वतंत्र साधन सुविधा निर्माण करपा खातीर पावलां उबारप गरजेचें जालां. उजो पालोवपी दळाचे मागणे कडेन आमदार जित आरोलकार हांणी लक्ष घालचें, ही मागणी नेट धरपाक लागल्या.

मांद्रें मतदारसंघाचे सुदैव म्हळ्यार, मगोचे आमदार जित आरोलकार हे सरकार पक्षाचो वाटो. ह्या संघाचें वेगान शहरीकरण जाल्ल्यान हांगा व्हडले व्हडले प्रकल्प येवपाचे वाटेर आसात. ह्या मतदारसंघांत पर्यटन एक उद्देग जाल्ल्यान थळाव्यांक खूबशे पर्याय उपलब्ध करून दितात. पर्यटन हंगामांत ह्या वाठारांत शॅक्स, रेस्टॉरंट्स, हॉटेल्स वेवसायीक तशेंच हेर संबंदीत वेवसायीक हाचेर निंबून आसात. तांकां सुविधायो पुरोवपाचो अधिकार सरकाराचो आशिल्ल्यान जनतेक वांगडा घेवन अश्यो सुविधायो उबारप गरजेचें आशिल्ल्याचें मत नागरिकांनी उक्तायलें.

### उजो पालोवपी दळाची मागणी पुराय करची

काल मांद्रें दर्यादेगेर सद्गुरू नायक आनी लक्ष्मीकांत नायक ह्या दोगा भावांच्या शॅकाक उजो लागलो आनी सुमार 7 लाखांचे लुकसाण जाल्ल्याची घडणूक घडली. पेडणेंच्यान उजोपालोवपी बंब मांद्रें वाठारांत पावपाक अर्द्या पावूण वराची गरज आसता. ताचे पयलीं शॅकाची स्थिती कितें जावं येता हें दिसून येता. पावण वरां उपरांत उजो पालोवपी दळाक शॅकांतलें सामान आनी वस्तू वाटोवप कठीण काम आशिल्लें. हरमला संजय नायक हांचे काजू बागायतीक हालींच जुनसवाडो वाठारांतले बागायतीक उजो लागून लाखांनी रुपयांचें लुकसाण जाल्लें. तेन्ना उजो पालोवपी दळाचो बंब पावचे पयलीं सगळें जळिल्लें. हालीं उज्याचो घडणुको बर्‍योच वाडिल्ल्यान उज्याचीं नेमकीं कारणां कळनात. ताका लागून वेवसायीक उबगल्यात.

मांद्रें, मोरजे आनी हरमल तशेंच केरी-तेरेखोल अश्या पर्यटना खातीर फामाद आशिल्ल्या स्थळां खातीर स्वतंत्र उजो पालोवपी दळ कार्यरत करपा खातीर आमदार जीत आरोलकार हांणी लक्ष घालचें अशी मागणी वेवसायीक करतात.

हरमलचे ग्रामसभेंत स्वतंत्र अग्निशमन दळाचे मागणेचो थाराव सरकाराकडेन धाडिल्ल्यान वर्सां उलगलीं, पूण आजूनय पेक्षीत परिणाम जावंक ना. तरी मांद्रें मतदारसंघाचे आमदार जित आरोलकार हांणी ह्या प्रस्ना कडेन जातीन लक्ष घालून मतदारसंघाची मागणी पुराय करपाची मागणी जाता.

# पर्यटन विभागाचे दर्याच्या पर्यटनाचेर चड लक्ष दिवपाचे यत्न: रोहन खंवटे

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**वास्को:** चडांत चड पर्यटकांक आकर्शीत करपा खातीर पर्यटन विभागान दर्यादेग आनी दर्याच्या पर्यटनाचेर चड लक्ष दिवपाचो यत्न केल्ल्याचें पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगलें.

मुरगांव बंदर प्राधिकरणांत विवीध पर्यटन गजालींचो आढावो घेवपा खातीर आयोजीत केल्ले एके बसके उपरांत खंवटे हांणी म्हायती दिली.

गोंयांत पर्यटनाक वाव मेळपा खातीर आनी पर्यटकांक आकर्शीत करपा खातीर आमी नौका पर्यटन आनी दर्यादेग पर्यटनाचेर चड लक्ष केंद्रीत करतात. केंद्रीय जहाजोद्योग मंत्री सर्बनंदा सोनोवाल हांच्या मार्गदर्शना खाला जाल्ल्या पयले 'अतुल्य भारत क्रूझ पर्यटन' परिशदेंत आमी आमच्यो खूबश्यो कल्पना मांडल्यो, अशी तांणी म्हायती दिली. गोंयांत पर्यटन साबार वाठारांनी वाडोवपाचें आसल्यार, दर्जेदार पर्यटक मेळोवचे आसल्यार तांच्यो अपेक्षा पुराय करपाची नदर बाळगुपाची गरज आसा. जाका लागून रोजगार आनी महसूल उपलब्ध जातलो, अशें खंवटे हांणी म्हणलें.

क्रूझ पर्यटनाचो विस्तार करपाचो आसल्यार आमकां योग्य रोड मॅप दिवप गरजेचें. मुरगांव बंदर प्राधिकरण गोंयचें पर्यटन चालीक लावपाक शकता, हें आमकां पळोवपाक जाय. ते संबंदी केंद्रीय पर्यटन, बंदर, जहाजोद्देग राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांचे वांगडा जाल्ले बसकेंत चर्चा केली. पर्यटकांक आकर्शीत करपा खातीर रोपवे आनी क्रूझ पर्यटन सारक्या प्रकल्पांच्यो कल्पना बर्‍यो आसा. पर्यटन वाडपा खातीर आमी सगळ्या संबंदितां कडेन उलयतां. श्रीपाद नायक हांचेंय आमकां फाटबळ आसा. केंद्राचो चडांत चड लाव ते आमकां मेळोवन दितले अशें तांणी सांगलें.

# आरोग्यधाम संस्थेक भेटयलें ईसीजी यंत्र आनी सावंड सिस्टम

नेत्रावळी आरोग्य सोसायटी संचलीत भलायकीधाम संस्थेक दक्षीण गोंय जिल्हो पंचायत वांगडी सुरेश केपेकार हांणी सावंड सिस्टीम, जाल्यार आलेम दि मडगांवच्या लायन क्लबा वतीन ई सी जी मशीन भेटयतना मानेस्त. (संदीप मापारी)

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**सांगें:** भलायकी मळार कार्यरत आशिल्ल्या नेत्रावळी सांगें हांगच्या नेत्रावळी भलायकी सोसायटी संचलीत आरोग्यधाम संस्थेक दक्षीण गोंय जिल्हो पंचायत वांगडी सुरेश केपेकार हांणी सावंड सिस्टीम जाल्यार आलेम दि मडगांवच्या लायन क्लबा वतीन ई सी जी मशीन भेटयलें. ह्या वेळार दुयेतीं खातीर काळीज तपासणी शिबीर घेतलें. ह्या वेळार डॉ महेश वेर्लेकार, सुशांत गांवकार, श्रीकांत वेर्लेकार, विजयकांत गांवकार, सतीश गांवकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आसतले. नेत्रावळी भलायकी धामचें काम तोखणाय करपा खसारकें आशिल्ल्यान गांवगिर्‍या वाठारांत दुयेतींक आदार थारता. कोवीड काळांत लोकांक सुविधायो उपलब्ध करून दिवपाक भलायकी धामान मोलाचें काम केलां. अशीच तांणी दुयेतींची सेवा करची, अशें सुरेश केपेकार हांणी सांगलें. लायन्स क्लबान दिल्ल्या ई सी जी मशिनाची निश्चीतूच लोकांक गरज पडटली आनी काळीज तपासपाकूय मजत जातली अशें केपेकार हांणी सांगलें. आपूण जिल्हो पंचायत निधींतल्यान सावंक सिस्टम दिल्या. ताचो योग्य वापर करपाचें आवाहन केलें.

संस्थेच्या पदाधिकार्‍यांनी सुरेश केपेकार आनी लायन्स क्लबाचे उपकार मानले.

# घटक राज्य दीस सुवाळो राजभवनाचेर

■ भांगरभूंय | डीआयपी

**पणजी:** सोमार ता. 30 मे 2022 दिसा 35 वो गोंय घटक राज्य दीस मनयतले. सकाळीं 11 वरांचेर दोनापावला राजभवनाच्या दरबार हॉलांत आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या सुवाळ्याक गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हे मुखेल सोयरे आसतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय संस्कृती, पर्यटन आनी उत्तर-पुर्व मळ विकासमंत्री श्री. जी. किशन रेड्डी हे मानाचे सोयरे आसतले. ह्या सुवाळ्यांत विंगड विंगड मळार उत्कृश्ट योगदान दिल्ल्या मानेस्तांचो सत्कार जातलो. सत्कामुर्तीमदीं गोंयच्या 12 आदल्या मुख्यमंत्र्यांचो आसपाव आसतलो.

ह्या वेळार गोंय घटक राज्य दिसाचेर ऑडिओ व्हिज्युअल फिल्म दाखयतलें. तशेंच हेर कार्यावळी सादर जातल्यो.

# आयज वीर सावरकर जयंती

■ भांगरभूंय | डीआयपी

**पणजी:** आयज ता. 28 मे 2022 दिसा सर्गेस्त वीर सावरकर हांची जयंती मनयेतले, अशें सर्वसामान्य प्रशासन-2 खात्यान कळीत केला. सकाळीं 10 वरांचेर पर्वरीच्या सचिवालय प्रकल्पांत वीर सावरकर हांच्या फोटवाक फुलांहार घालतले.

# सम्राट क्लबान घेतली पुरुमेंत पदार्थ करपाची सर्त

फोन्ताईनस पणजी हांगच्या 'ग्लोबल टू लोकल' स्टोराच्या सहकार्यान सम्राट क्लब पणजी वतीन आयोजीत जेवणाचे सर्तींत जैतिवंत जाल्ल्या सर्तकां वांगडा अमिता सलत्री. कुशीक हेर मानेस्त.

■ भांगरभूंय | खबरां मेज

**पणजी:** फोन्ताईनस पणजी हांगच्या 'ग्लोबल टू लोकल' स्टोराच्या सहकार्यान सम्राट क्लब पणजी वतीन एके वेगळे जेवणाचे सर्तीचें आयोजन केल्लें. पुरुमेताचें नुस्त्याचें वा शिवराक लोणचें आनी सरबत हे सर्तीचे विशय आशिल्ले.

हे सर्तींत पुराय गोंयच्यान साबार सर्तकांनी वांटो घेतिल्लो.

रुच्चीक फेम अमिता नायक सलत्री आनी शिवानी शर्मा (हॉटेल वेवसायीक) हांणी सर्तीचें परिक्षण केलें.

पणजी सम्राट क्लबाची अध्यक्ष प्रेरणा पावसकार हांणी सगळ्यांक येवकार दिलो. आशा आरोंदेंकार आनी आशा वेर्णेकार हांणी परिक्षकांची वळख करून दिली.

सम्राट वांगडी पुजा केंकरे हांणी समन्वयक म्हणून काम पळयलें. आशा आरोंदेकार हांणी उपकाराचें उलोवप केलें. परिक्षकां हस्तुकीं सगळ्या जैतवंतांक रोख आनी भेटवस्त भेटयली.

शिवराक लोणच्याचे सर्तींत पयलें इनाम मनीषा बोरकार, मृणाल नार्वेकार हाका दुसरें आनी तिसरें तेजा नागवेंकार हाका फावो जालें.

बिगर मांसाहारी लोणच्याचे सर्तींत प्रीती शेटये हाका पयलें इनाम फावो जालें.

सरबत करपाचे अर्तींत बिंदा कामत तेली हाका पयलें, शुब्बू नायक दुसरें आनी तिसरें स्मृती पै हाका इनाम फावो जालें.

# जून म्हयन्या खातीर रेशन कोटा

■ भांगरभूंय | डीआयपी

**पणजी:** जून म्हयन्या खातीर अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक 3 रूपया दरान 35 किलो तांदूळ दितले. प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजणेच्या रेशन कार्डधारकांक मनशा फाटल्यान 5 किलो तांदूळ फुकट दितले.

प्राधान्यक्रम कुटुंबांक 3 रूपया दरान लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदूळ दितले. प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजणेच्या रेशन कार्डधारकांक 5 किलो तांदूळ फुकट दितले.

एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान प्रती कार्ड 9 किलो तांदूळ आनी 10 रूपया दरान 5 किलो गंव दितले.

कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक तांदूळ 6.15 रूपया दरान आनी गंव 4.80 रूपया दरान वाट्टले.

सवाय धान्य दुकान धनयांनी 31 मे 2022 मेरेन आपलो धान्य कोटा व्हरून रेशन कार्डधारकांक वाटचो. रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानांतल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

# चापोली धरण आनी वाठार केलो नितळ

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**काणकोण:** महात्मा गांधी राष्ट्रीय रोजगार येवजणे खाला चापोली हांगचो धरण वाठार आनी उदकास्रोता खातीर धरणांतल्यान उदक सोडपी कॅनल नितळ केलो. ह्या वेळार कॅनल नितळ करतना ह्या वाठारांत वाडिल्लीं झोपां नितळ केलीं. ताका लागून थळाव्यांक सुमार 100 दीस काम मेळ्लें. काणकोणचे गटविकास अधिकारी अनिल नायक, अभियंते उल्हास गांवकार, मनेरेगाचे अजय तुबकी, तेजस्विनी कोमरपंत, जलसिंचन खात्याचे अभियंते गणेश वेळीप आनी धनंजय कोमरपंत हांणी धरणाक भेट दिवन केल्ल्या कामा विशीं समाधान उक्तायलें.

# मागासवर्गीय समाजा खातीर काम करपी एनजीओंक येवजण्यो

■ भांगरभूंय | डीआयपी

**पणजी:** एससी/ओबीसी/ईबीसी समाजाची उदरगत आनी कल्याणा खातीर काम करपी बिगर सरकारी संस्थांक अर्थीक मजत करपा खातीर केंद्रीय सामाजीक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालया वतीन साबार येवजण्यांची अंमलबजावणी करता. ओबीसी/डीएनटी/ईबीसी समाजांतल्या युवकांची कुशळटाय विकासा खातीर मदत, एससी समाजांतल्या युवकांची सामाजीक-अर्थीक आनी शिक्षणीक परिस्थिती सुदारपा खातीर काम करपी आपवावुरपी संस्थां खातीर अर्थीक मदत आनी अशां हेर येवजण्यांची मंत्रालया वतीन अंमलबजावणी करतले.

अश्या येवजण्यां खाला अर्थीक लाव घेवपा खातीर संबंदीत संस्था/संघटणांनी केंद्रीय सामाजीक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालयाच्या www.socialjustice.gov.in.ह्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवची वा समाज कल्याण संचालनालय, एससी/ओबीसी कल्याण विभाग, पणजी गोंय हांगा 0832- 2232257 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो, अशें समाज कल्याण संचालनालयान कळीत केला.

# साबार वाठारांनी लायट आसची ना

■ भांगरभूंय | डीआयपी

**पणजी:** आयज, ता. 28 मेक 33/11 केव्ही शिरोडा वीज उपकेंद्राचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळीं 9 ते सांजेचीं 6 वरां मेरेन पंडगाळ, घोडपे, गंगानगर, तिरूमला, आयुर्वेद म्हाविद्यालय, वाजे, हळदय, मंडलेश्वर, काराय मळ, चर्च, काराय बाग, भलायकी केंद्र आनी झरीवाडो वाठारांत लायट आसची ना.

तशेंच आयज 11 केव्ही बाळ्ळी फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळीं 9 ते दनपरां 2 वरां मेरेन फातर्पा-किटला पंचायत वाठार, मोरपिर्ला पंचायत वाठार आनी बाळ्ळी पंचायतीच्या काजू बुरिंग वाठारांत लायट आसची ना.

फाल्यां, 29 मे 2022 दिसा 11 केव्ही अस्नोडा फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळीं 9 ते दनपारां 2 वरां मेरेन वाळशी, मुळगांव, मयते, मदलोवाडो, अस्नोडें, कैलासनगर, गणेश नगर, खोरिवाडो, पायपां फॅक्टरी, सेंट. क्लारा चर्च आनी भोंवतणच्या वाठारांत लायट आसची ना.

तशेंच ता. 29 मे 2022 दिसा 11 केव्ही पिर्णा फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळीं 9 ते दनपारां 2 वरां मेरेन अडवळपाल, मेणकुरें, आमठाणे, धुमाशें आनी भोंवतणच्या वाठारांत लायट आसची ना.

# भुरग्यांक योग्य पिरायेचेर संस्कार मेळप गरजेचें: उदय म्हांबरो

## मदनंत मुक्तांगण संस्थे वतीन स्नेहसंमेलन आनी इनामां भेटवण सुवाळो

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**सावयवेरें:** भुरग्यांक योग्य पिरायेचेर संस्कार मेळप खूब गरजेचें. पयलीं भुरग्यान घरांतूच आवय-बापूय, आजी-आज्या कडल्यान संस्कार मेळटाले. पूण आयज विंगड विंगड कारणांक लागून योग्य संस्कार जातना दिसना. पूण फाटलीं वीस वर्सां जालीं सावयवेरें गांवांतली मदनंत मुक्तांगण ही शिक्षणीक संस्था ल्हान भुरग्यांचेर योग्य सुसंस्कार जावपा खातीर कार्यरत आसा. भुरग्यांच्या गुणांक वाव दिवपा खातीर ही संस्था यत्न करता. सावयवेरें आनी वळवय गांवचे लोक फुडाकार घेवन ही संस्था चलयल्ल्यान आयज मेरेन ही संस्था तग धरून आसा, अशें नामनेचे कवी आनी लेखक उदय म्हांबरो हांणी सांगलें.

सावयवेरेंच्या मदनंत मुक्तांगण शिशुवाटिका, योग वर्ग आनी मनिशा स्मृती प्रतिश्टान संगीत वर्गा वतीन आयोजीत केल्लें भुरग्यांचें जोड स्नेहसंमेलन आनी इनामां भेटवण सुवाळो ग्रामपंचायत वाचनालयाच्या सभाघरांत हालींच जालो. ह्या वेळार म्हांबरो मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले.

सावयवेरेंच्या भुरग्यांक इनामां भेटयतना उदय म्हांबरो. कुशीक महेश शिलकार, संदेश खेडेकार, कल्पेश मुळगांवकार आनी मकरंद अभिषेकी.

माचयेर मुखेल सोयऱ्यां सयत खासा आमंत्रीत म्हणून पंच वांगडी महेश शिलकार, योग शिक्षक कल्पेश मुळगांवकार, संगीत शिक्षक संदेश खेडेकार आनी मुक्तांगण वेवस्थापन समितीचे अध्यक्ष मकरंद अभिशेकी हाजीर आशिल्ले.

महेश शिलकार हांणी, दरेका मनशान खंयचोय एक छंद वा एखादी कला आत्मसात करची. अशें केल्यार मनशाची जीण सुखी आनी उमेदी जावपाक मजत जातली. आपलें राज्य प्रशासन चलयता. पूण सरकारा परस गोंयांत आशिल्ले विवीध शिक्षणीक, सामाजीक, सांस्कृतीक, सहकार अश्या विंगड विंगड संस्थांचो तितलो मोलाचो वांटो आसा. मदनंत मुक्तांगणा सारकें शिक्षणीक केंद्र जर नासत जाल्यार भुरग्यांचेर योग्य संस्कार जावप कठीण, अशें तांणी सांगलें.

सुरवातेक संगीत वर्गांतल्या भुरग्यांनी गीत सादर करून सगळ्यांक येवकार दिलो. मानेस्ता हस्तुकीं परंपरीक रितीन दिवली पेटोवन कार्यावळ सुरू जाली. विलास पालकार हांणी ह्या वेळार आपले विचार मांडले. शिक्षिका सुषमा अभिषेकी हांणी जैतवंत भुरग्यांची वळेरी सादर केली. मानेस्तां हस्तुकीं भुरग्यांक इनामां भेटयलीं.

पुराय कार्यावळीचें सुत्रनिवेदन श्रीरंग जांभळे हांणी केलें.

पुराय कार्यावळीचें सुत्रनिवेदन श्रीरंग जांभळे हांणी केलें. निमाणें तांणीच उपकार मानले. उपरांत योग सेवा मंगल प्रतिश्ठान सावयवेरेंच्या भुरग्यांनी योगाचें प्रात्यक्षीक सादर केलें. संगीत वर्गा वतीन संगीताची कार्यावळ जाली आनी मुक्तांगणच्या भुरग्यांनी विंगड विंगड कार्यावळी सादर केल्यो.

# काणकोणच्या आर्य प्रभुगांवकाराचें दोळे दिपकावपी येस

## 600 तले 577 गूण घेतले

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**काणकोण:** बारावेचे परिक्षेंत पैंगीण काणकोणच्या आर्य प्रभुगांवकारान ,विज्ञान फाख्यांत 600 तले 577 (96.17 टक्के) गूण मेळोवन दोळे दिपकावपी जैत जोडलां.

शिक्षणाची तळमळ आनी उंच हावेस घेवन काणकोण म्हालातल्यान मुखावेल्या नीट (NEET) शिक्षणा खातीर प्रवेश घेवपाक ताणीं मडगांवच्या श्री दामोदर विज्ञान उच्च माध्यमीक विद्यालयांत प्रवेश घेतलो.

कोवीड म्हामारीच्या काळांत साधारण देड वर्स सगळेच शिक्षण ऑनलायन माध्यमांतल्यान जाले. तरी आर्यान आपले ध्येय साध्य करपाचे नदरेन शिक्षणा वांगडाच प्रश्नमंजूशा सर्तींत वांटेकार जावन राज्य पांवड्याचेर साबार इनामां जोडलीं. अभ्यासा वांगडाच फावो त्या वेळात

फोटोग्राफी, शारिरीक खेळ सातत्यान आर्यानान चालूच दवरिल्ले.

ल्हान पिराये सावन आर्याक अभियांत्रिकी वा वैजकी मळ आवडटा. देखूनच ताणें नीटाचेर (NEET) आपलें लक्ष केंद्रीत करुन बरे गूण मेळोवन आपल्याक नावाजतो दोतोर जावपाची इत्सा उक्तायल्या.

# सुमती – एक शोकांतिका, आदींय आनी आयजूय...!

लेखक अभयकुमार वेर्लींगकार हांची सुमती ही नवलिका संत वर्धन प्रकाशनाचे वतीन 1985 वर्सा उजवाडायली. कादंबरी ह्या साहित्य प्रकाराचें स्वरुप अभ्यासतना त्या पासत आसपी करार, काळ, आवाज हे पैलूं मतींत घेवचें पडटले. कथानात्मक ह्या साहित्याच्या मूळभूत प्रवृत्तींत कादंबरी हो प्रकार मोडटा. तातूंत कादंबरीकारान अणभवल्या जिणचें तटस्थपणान केल्लें कथन वाचपाक मेळटा. चड करून अदीक लांबीच्या काल्पनीक, वास्तव वा मिश्र कथा आशिल्ल्या गद्य लेखनाक कादंबरी अशेंय म्हणटात. कादंबरी हें उतर सातव्या शेंकड्यांत बाणभट्ट ह्या कवीन बरयिल्ल्या कादंबरी ह्या ग्रंथा वेल्यान आयलां.

सुमती ही ल्हान नवलिका. अस्तुरी आनी समाज हांचे यथार्थ चित्रण आशिल्ल्या सुमतीक त्या तेंपार वाचप्यांनी उपाट प्रतिसाद दिला. सुमतीक लघुकथा म्हणूं नज. कित्याक तर साहित्यीक स्वाती कर्वे हिच्या मतान- जी कथात्म कलाकृती मानवी जिणेंतल्या व्यक्तीगत पांवड्यार अदीक विकासाक पावता. तशेंच ती एक सुत्राच्या मजतीन समुह जिणेंचें चित्रण करता. आपल्या मर्यादीत विकासांत एका स्वतंत्र जिणेंचें, संघर्शाचें भान हाडून दिता. कादंबरी तंत्रान विकसीत जावन मर्यादीत अवकाशांत सोंपता. तीच लघु कादंबरी. जाल्यार जो अणभव व्यक्तीगत पांवड्यार अदीक रेंगाळटा. तशेंच एका सुत्रांत जिणेचें चित्र उबें करीत आसता, कथात्म लेखन प्रकार म्हळ्यार लघुकादंबरी अशें कर्वे मानतात.

हांवें जेन्ना सुमती ही नवलिका वाचली. तत्कालीन समाज वेवस्थेचो राग आयलो. अर्थात आयज लेगीत तीच परीस्थितीं आसा. तरीय कांय प्रमाणांत खूब सुदारल्या अशें म्हळ्यार चूक थारचें ना. तत्कालीन समाजाची परिस्थिती तांची मानसिकताय, अस्तुरेक मेळपी उणाक दर्जाची वागणूक, ही परिस्थितीं आयज लेगीत तशीच पळोवपाक मेळटा.

पुरुसप्रधान संस्कृतायेंत अस्तुरेक मेळपी उणांक दर्जाची वागणूक ही तर, वर्सान-वर्सां पसूनची शोकांतिकाच. हीच शोकांतिका, हीच व्यथा, लेखक अभयान सुमतींत मांडल्या. ही कथा आसा स्वातंत्र्या उपरांतच्या काळांतली. ज्या काळांत बाल विवाह सारक्यो परंपरा देशांत चलताल्यो. चलयांक शिक्षणाचो मुळावो अधिकार नासलो. तर ह्या कथेंतली नायिका आसा सुमती. तिची आवय वोंवळ, बापूय नाना, हीं सगलीं पात्रां कथेचो गाभो आसात. आनी तांच्या घराब्यां भोंवतणी हें कथानक घुंवता.

म्हज्या मतान दरेक साहित्य कृती भाशेच्या माध्यमांतल्यान साकार जायत आसता. अशें आसलें तरीय लेखकागणिक आनी साहित्य कृतीच्या आशय गणिक, दरेक साहित्य कृतीची भास ही वेग-वेगळी रुपां धारण करता. कादंबरीचो विचार करतना तिच्यातल्यो घडणुको आनी अभिव्यक्तींक जितलें म्हत्व आसता, तितलेंच म्हत्व कादंबरींतल्या भाशेक आसता. कादंबरी हो साहित्य प्रकार मुळांत बहू केंद्रीय आशिल्ल्यान, भास ही अभिव्यक्तीचें प्रभावी माध्यम थरता. कादंबरीच्या स्वरुपा विशीं भालचंद्र नेमाडे म्हणटात- कादंबरीची भाशींक रुपां कादंबरीच्या संहितेंतल्यान भाशीक रूपांच्या परस्पर संबंधांतल्यान निर्माण जायत रावतात.

**पुरुसप्रधान संस्कृतायेंत अस्तुरेक मेळपी उणांक दर्जाची वागणूक ही तर, वर्सान-वर्सां पसूनची शोकांतिकाच. हीच शोकांतिका, हीच व्यथा, लेखक अभयान सुमतींत मांडल्या. ही कथा आसा स्वातंत्र्या उपरांतच्या काळांतली.**

देखून नेमाडे हांच्या वयल्या विवेचनांचो चिकित्सकपणान आमी विचार करतात. तेन्ना कादंबरींतल्या भाशेक एक वेगळें कितेलें म्हत्वचें स्थान आसा हें जाणवता. भास ही सादी, रसाळ, आनी रसरशींत आसूंक जाय. लेखक अभय ह्या मळार यशस्वी थारला. ताच्या कादंबरीची भास ख-यानीच उत्कृश्ट आसा. तरीय अभय बाब हांणी म्हणीं, ओपारी आनी वाक्यप्रचारांचो खूबच उणो उपेग केला हेंय खात्रेन जाणवल्या बगर रावना. कादंबरीची भास अदीक प्रभावी आनी सैमीक जावपा पासत बोलींतलीं भास, वाक्यप्राचरांची येवजण करतात. पूण हो प्रयोग सुमतींत अजिबांत जाल्लो दिसना. तशेंच त्या-त्या पात्रांच्या तोंडांत, त्या-त्या वाठारांतलीं बोली भास जर लेखकान तांच्या मुखांत (तोंडांत) संवांदांतल्यान घाल्लीं, जाल्यार दुदांत साकर पडिल्ले भशेन जातासलें. पूण एका उच्च वर्णीय भाशेचो प्रभाव खरपणान जाणवता. देखून ताचो अभाव तातूंतल्या व्यक्तींरेखांचेर पडल्यार नवल कसलें.

हे कादंबरींत रुपक, प्रतिमां आनी प्रतिकांचो वापर उणोच जाणवता. अशीं रुपकां, प्रतिकां आनी प्रतिमां वापरल्यार अनुषांगिक अभिव्यक्तीक अदीक सामर्थ्य येता. तरीय हे कादंबरीचो शेवट मनाक भिडटा. देख- सगळ्या गांवभर खबर पाविल्ली, सुमतीक पिशें लागलें. एक नशीब उटलें. तें आवयचेर सूड घेवंक गेल्लें. दैवान ताचेंरूच सूड घेतलो. आंगार कपडेच दवरिनाशिल्ल्यान सुमतीक पळोवंक वोंवळा बांयच्या दारांत लोक जमताले. आनी तांकां धांवडावपाचें काम आपाक करचें पडटालें. सुमतीची वाट कोणें लायली. तें जाणां जावन वोंवळबाय याद काडटाली, आपल्या घोवाची-नानाची, आपल्या कर्माचो तिका आतां पश्चाताप जातालो. पूण वेळ केन्नाच गेल्लो. लोक मात म्हणटाले- पिशे लागपाचो हो देखाव, लोकांक फटोवंक, धुवेन आवयच्या पावलार पावल दवरल्लां. आनी सुमतीची काणी घडोवपी दैव मात व्हडा व्हडान हांसतालें...

तर अश्योच सुमती आनी ताची आवय. आयज लेगीत 22 व्या शेंकड्यांत आमकां पळोवंक मेळटा. हुंडोबळी, स्त्रीभृण हत्या, बलात्कार ह्या सारक्यो घडणुको आयज लेगीत तितल्याच सहजतायेन घडटाना दिसतात.आयज कांय अस्तु-यो ह्या अन्याया विरोधांत झुजतना दिसतात. ही खोसयेची गजाल. पूण अजूनय अस्तुरी ही एक उपभोग वस्तू म्हूण तिच्या लागीं पळयतात? तशेंच साबार मळांर तिची जावपी प्रगती. हिचो लेगीत कांय जाण व्देस करतात. तरीय ही मानसिकताय खंयतरी बदलपाक जाय. तेन्नाच ख-या अर्थान स्त्री-पुरुस समानताय आसा अशें म्हणचें पडटलें.

एक काळ असोय आसलो, जेन्ना गोंयकारांची एक पुराय पिळगीं कोंकणीच्या मोगान पिशी जाल्ली. कोंकणी खातीर कितेंय करपाची तयारी अशिल्ले अशे हे लोक. कोंकणीक कोणेंय कितेंय म्हणलें जाल्यार रागान पेटून उठ्ठालें, कोंकणीक हिणसावपी तर चांटये पावलांक मेळटाले, तांचो मुखेल प्रस्न आसतालो, कितें आसा रे, तुमचे कोंकणींत? आनी तांकां जाप दिवचे खातीर जें कितें ना म्हणटात तें तयार करून तांच्या मुखार आपटिताले. त्या काळार कोंकणींत चड पुस्तकां नाशिल्लीं. बरोवपी जायते अशिल्ले पूण लेखकांचे लागीं दुडूं नासताले. तरीय कांय प्रकाशनांनी हो पुस्तकां उजवाडावपाचो व्हड वावर केलो. तातूंतल्यान सिलास मारनर, बर्फाचें जग, सुमती, लव्हस्टोरी आनी हेर जायत्यो कादंबरी उजवाडाक आयल्यो, हो इतिहास न्हयकारूं नज. आतांच्या कोंकणीं समिक्षकांक तीं ल्हान दिसूं येत, पूण तें एक व्हड काम आसलें. आनी त्या काळा वेल्या लेखकांनी आनी प्रकाशकांनी, त्या कठीण काळार तें काम केलें. देखून तांकां वालोर आनी नमन...

**विशाल खांडेपारकार**
8080622370

# सकाळीं उट्ठल्यांक जातलें मंगळ- गुरूचें 'रोमॅन्टीक' दर्शन

ह्या दिसांनी आमच्या राशीं- चक्रांतली निमार्णी रास "मीन" (Pisces), खगोलशास्त्र मोग्यांचे खास आकर्शण जायत चल्ल्या. फाटल्या थोड्या दिसा सावन हे राशींत फांतोडेच्या वेळार, एका फुडल्यो एक खास घडणुको घडत आसात. आमचें जाण्टेले जांकां भोंवडेकार (Wanderers) म्हूण पाचारताले, तातूंतलेंच थोडे वेंगान प्रवास करपी गिरे, ह्या दिसांनी मीन राशीत दिसतात.

हालींच जाल्ले शुक्र- चंद्राचे जुगलबंदी उपरांत, आतां थंय गुरू- मंगळाच्या मिलनाची तयारी चल्ल्या. म्हळ्यार फाल्यां (29 मे) हे दोगूय गिरे एकामेकांक तेंकून, सामकें लागीं दिसपाचें आसात. फांतोडेर अदमासान 4 वरां सावन ते सुर्य उदेंव मेरेन, तांकां उकत्या दोळ्यांनी लेगीत सोंपेपणान पळोंव येता. दुर्बिणींतल्यान पळयतगीर, गिरावळींतले ते 4 आनी 5 नंबरचे शेजारी गिरे, एकाच छिद्रांतल्यान दिसतले. 30 तारखेकूय बी ते लागीं-लागीं तेंच तरेन दिसतले. मंगळ गिरो मात मात्सो गुरूच्या सकयल्या वटेन देविल्लो दिसतलो.

सुर्यमाळेंतलें गिरे, कशे तरेन आपल्या थारायिल्ल्या कक्षेंतल्यानच परिभ्रमण करतात, ते असल्या घडणुकी वयल्यान शिकूंक मेळटा. सुर्याचे अफाट गुरूत्वाकर्शणाचे नियंत्रणा खाला हें सगळें घडटा. मळबांत दिसतना, गिऱ्यांचो राजा गुरू आनी तांबडो गुंज मंगळ जरी लागीं आशिल्ले वरी भासतले, तरीय प्रत्यक्षांत ते त्या दिसा अदमासान 56 कोटी किलोमिटर इतलें पयस आसतले.

मीन ही दोन नुस्त्याचो आकार आशिल्ली राशीचक्रांतली बारावी रास. पुरातन काळांत आमच्या जाण्टेल्यांक, मळबांतल्या त्या वाठारांतलें तारे एकठांय जोडले उपरांत नुस्त्या भशेन दिसले, म्हूण तांकां त्या तरेचो परिचय फावो जालो. आमच्या बाकीच्या 11 राशींकूय अशाच विचारांतल्यान आकृत्यो भेटयल्यात आनी त्यो याद उरच्यो म्हूण तांचेर वेगवेगळ्यो काणयोय रचल्यांत. हीं राशीं-चक्रां म्हळ्यार दुसरें-तिसरें कांयच न्हय तर, एक व्हडली घडयाळ, जी मनशांक पयलींच्या तेंपार रुतूचक्र समजूपाक आनी तांची याद दवरपाक मदत करताली. वेळ कितलो जालो हेंच सांगपा खातीर, तांची रचणूक केल्ली.

प्रकाश प्रदूशणांक लागून, आतां त्यो राशी-चित्रां, पयलींच्या काळां भशेन स्पश्ट दिसना आसत, पूण जेन्ना सुर्यमाळेंतले गिरे तांच्या म्हऱ्यांत येता, तेन्ना बारकायेन पळयले की, तांच्या आकृतायेंत थोडें तरी साम्य जाणवता.

ही पुराय घडणूक जर कोणूय एकदम काळोख आशिल्ल्या वाठारांत रावन पळयत जाल्यार, तांकां खगोलशास्त्रांतली आनीक एक खास वस्त पळोवपाक मेळटली, ती म्हळ्यार आमची शेजारी-आकाशगंगा, "देवयानी" (Andromeda Galaxy). गुरू-मंगळ जोडप्याच्या (आनी मीन राशीच्या) दावे वटेन, क्षितीजा वयर ती सारकी उदेंतना दिश्टी पडटली.

थोडे शास्त्रज्ञ म्हण्टात की, फुडाराक ही शेजारची आकाशगंगा खंय आमच्या दुदगंगे बरोबर आपटपाची आसा. तांची ती टक्कर जावचें पयलीं, आस्वादकांनी तिका बरे तरेन पळोवन घेवची, हीच आमची इत्सा. पुराय ब्रह्मांण्डांतली ती एकूच अशी आकाशगंगा आसा, जी उकत्या दोळ्यांनी लेगीत स्पश्ट दिसता.

**गौतम जल्मी**
gautamjalmi@gmail.com

# लिबर्टी ॲण्ड लायट महोत्सव आयज सावन

**लिबर्टी आनी लायट हो गोंयचो महोत्सव 28 ते 30 मेरेन पणजेच्या मॅकानिज पॅलेसांत जातलो. ते निमतान.....**

गोंयचो म्हान तत्वज्ञ फ्रान्सिस्को लुईस गोम्सान 161 वर्सां आदीं त्या काळांतलो युरोपी बुदवंत आल्फोन्स द लामार्टीन हाका एक भावपूर्ण विनवणी बरयिल्ली. " हांव भारतांत जल्मलों. एका काळार कविता, तत्वगिन्यान आनी इतिहासाचें पाळणें आनी आतां तांची कबर. म्हाभारत रचपी, बुद्धीबळाचो सोद लावपी वंशांचो हांव. पूण आपल्या कवितांची संहिता करून खेळांत राजकारण सुत्रबद्ध करपी हें राष्ट्र आतां जिवें ना! तें आपल्याच देशांत बंदखणींत पडलां. भारता खातीर हांव स्वातंत्र्य आनी उजवाडाची मागणी करतां."

तें तेजस्वी विधान आयज 28 मे दिसा उक्तावण जावपी गोंयच्या लिबर्टी अँड लायट फेस्टिवलाचेर उजवाड घालता. तो सोमार 30 मे मेरेन चलयलो. भव्य पोरणें गोंय वैजकी महाविद्यालयाच्या दायज संकुलांत, जंय गोम्सान आपल्या बहुआयामी प्रतिभेन पयलेच खेपे नामना मेळयली. विचारांचो एक लोकोत्सव, मोग आनी समाजाचे उत्कृश्ट प्रतिभेचें प्रदर्शन घडोवपी ह्या उत्सवांत तीन आकर्शक सादरीकरण सांजवेळां आसतलीं. जीं सगळ्यां खातीर उक्तीं आसात : सोनिया शिरसाट आनी मद्रागोवा, लू माजाव, द ब्राज गोन्साल्वीस क्विंटेट, डॅनियल फर्नांडीस, दुले रॉकर, इम्फाल टॉकीजाचे आखु चिंगबंगम, ओमकार रेगे, क्यू, इम्पाना कुलकर्णी + द मस्टर्ड सीड्स आर्ट कंपनी.

सुवाळ्याचीं कांय खाशेलपणां : पुस्तक लोकार्पण - ज्ञानपीठकार दामोदर मावजो हांच्या 'द वेट अँड अदर स्टोरीज' (अणकारपी- झेवियर कोटा) 28 मे सांजवेळा चार वरांचेर, तशेंच 29 मे दिसा सांजवेळा 4 वरांचेर इन्कलाब जिंदाबाद : इकरूप संधू हांचें भगत सिंगाचें चरित्र, नम्रता बच्चन आनी ट्रेलब्लेजर्स हांचें अ फुल सर्कल, फातिमा सिल्वा ग्रासियस हांणी बरयल्लें गोवन वूमन अचीव्हर्स, तशेंच जेन बोर्गेसाची बऱ्याच काळा सावन वाचक वाट पळयतात, तें गोवा डिबेट ऑफ बॉम्बे बाल्वांव.

मेड इन गोवा : भारताच्या ल्हान राज्यांत आनी त्या राज्यांतले उल्लेखनीय नवनिर्माणाचें काम करपी लोकां कडेन संवादाची माळ : अयाज बसराय, देसमंडजी, एडिबल आर्काइव्हस, बुलंद शुक्ला, शेफ अविनाश मार्टीन्स, दिलीप मिनेझेस, राहूल पै पाणंदिकार, डेव्हिड द सौझा आनी बेनहैल आंताओ.

लांचपॅड गोंय : सगळ्यांच्या आदर्श वर्क-फ्रॉम-होम पद्दतींत नव्या वेवसायाच्या फुडाराची तपासणी करपा खातीर build3 कडल्यान आयोजित केल्ली संवादाची माळ, जातूंत प्रणय गुप्ता (91 स्प्रिंगबोर्ड), साहिल बरुआ (डेल्लीवेरी), वैभव छाबरा (मेकर्स ॲसायलम), संदीप मुखर्जी (ब्लायव), रायन प्रझेरेस (वनबोर्ड) आनी अश्विन बॅरेटो (दॅट लायफस्टायल कोच).

# ड्रोन महोत्सवांत जिओच्या कंपनींनी दाखयली तांक

■ भांगरभूंय | खबरां संस्था,

**नवी दिल्ली :** जिओ प्लॅटफॉर्माच्या दोन उपकंपन्यांनी दिल्लींत सुरू आशिल्ल्या इंडिया ड्रोन फेस्टिव्हलांत आपली तांत्रिक कुशळटाय दाखयली. बेंगळुरूची एस्टेरिया ऐरोस्पेस लिमिटेड ही एक पूर्ण-स्टॅक ड्रोन तंत्रज्ञान कंपनी, जी सॉफ्टवेअर तशेंच ड्रोन हार्डवेअराचेर काम करता. दुसरे कडेन, सांख्यसूत्र लॅब, जिओ प्लॅटफॉर्माकडेन संबंदीत आनीक एक कंपनी आसून ती मल्टीफिजिक्स, एरोडायनॅमिक्स सिम्युलेशन सॉफ्टवेअर आनी सखोल तंत्रज्ञानाची तज्ञ आसा.

दिल्लींतल्या ड्रोन महोत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ड्रोन हवेंत सोडटना. कुशीक ज्योतिरादित्य शिंदे आनी हेर.

28 मे दिसा प्रगती मैदान, दिल्ली हांगा जावपी इंडिया ड्रोन फेस्टिव्हलात दोनूय कंपनी वांटेकार जातात. महोत्सवाचें आयोजन नागरी विमान येरादारी मंत्रालय आनी ड्रोन फेडरेशन ऑफ इंडिया हांणी केलां.

महोत्सवाच्या उद्घाटनाक आयिल्ले प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी एस्टेरिया स्टॉलाक भेट दिली. तांणी ड्रोन तंत्रज्ञानाची म्हायती घेतली आनी रिमोट कंट्रोलाचे मजतीन स्वता ड्रोन हवेंत सोडलें. ड्रोन उद्येगा विशीं आपलें व्हिजन शेअर करताना तांणी आशा व्यक्त केली की, दशकाचे अखेरेक भारत हो पुराय संवसाराचो ड्रोन हब जातलो. ते खातीर भारत सरकार ड्रोना कडेन संबंदीत उद्देगाक पुराय पालव दिलतो.

एस्तेरिया स्टॉलाक मोदी हांचे भेटीन उत्साही जाल्ले निहार वर्तक- कंपनीचे सह-संस्थापकान सांगलें, की, ही कार्यावळ आमचे खातीर ड्रोन आनी स्कायडेक प्रदर्शित करपाची एक बरी संद आसा. आमी 10 वर्सां पयलीं भारताच्या ड्रोन स्पेसांत प्रवेश केल्लो, तेन्नासावन ह्या उद्देगाची गती, वाड पळयतात.

जेन्ना आमी राखणे मळा वयल्या स्वावलंबना विशीं उलयतात, तेन्ना आमी साबार फावटी हार्डवॅर घट करपाच्या देशाचे तांकीचेर लक्ष केंद्रीत करतात. मात स्वदेशी डिझायना बगर आत्मनिर्भरताय येवंक शकना. सांख्य सुत्रांत आमी भारत आनी संवसारा खातीर तंत्रज्ञान विकसीत करपाचें काम हातांत घेतलां, अशें डॉ सुनील शेर्लेकर, सीईओ, सांख्य सूत्र लॅब हांणी सांगलें.

### आदलें सरकार आसलें उदास.....

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, आतल्या सरकाराच्या काळांत तंत्रज्ञान हो समस्येचो भाग मानताले. तंत्रज्ञान हें गरीब विरोधी आसा, हें सिद्द करपाचो यत्न जातालो. देखून 2014 पयलीं तंत्रज्ञानाच्या वापरा विशीं सामकी उदासीन वातावरण आशिल्लें. हाका लागून सगल्यांत चड लुकसाण गरीब, वंचित, मध्यमवर्गाचें जालें. पयलीं लोकांक कड्डण, धान्य, केरोसीन, साकरे खातीर वराचीं वरां लायनी रावचें पडटालें. म्हाल मेळटलो काय ना, हाची भिरांत आशिल्ली. मात आतां तंत्रज्ञानाचे मजतीन आमी ही भिरांत पयस केल्या.**

# गालजीबाग वाठारांतलें धोकादायक झाड मारलें

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**काणकोण:** गालजीबाग शाळे लागसार सुकिल्लें झाड आपत्कालीन वेवस्थापनान काडचें अशी मागणी कॉंग्रेस पक्षाचे सरचिटणीस जनार्दन भंडारी हांणी सोमारा संबंदीत खात्यांक निवेदना वरवीं केल्ली. उजो पालोवपी दळान शुक्रारा तें धोकादायक झाड मारलें.

ह्या वेळार मामलेदार कार्यालयाचे आपत्कालीन वेवस्थापन समितीचे, येरादारी विभागाचे, पुलीस तशेंच जनसेनेचे पदाधिकारी, कॉंग्रेसीचे जनार्दन भंडारी, प्रलय भगत, गास्पार कुतिन्हो, वैष्णव पेडणेंकार, सिद्धार्थ गायक, महिला मोर्चा अध्यक्ष हाजीर आशिल्ली.

# वेळाचें म्हत्व समजून घेयात, प्रामाणिकपणान काम करात

## मिनीन मारियो : 'कलाकाराची भेट' कार्यावळींत विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**मडगांव:** मनशान जिणेंत येसस्वी जातलो जाल्यार वेळ आनी प्रामाणीकपण हांचें म्हत्व समजून वावर करपाक जाय अशें नामनेचे तियात्रिश्त, दिग्दर्शक, कांतारां बरोवपी आनी कलाकार मिनीन मारियो हांणी सांगलें.

मडगांवच्या पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान घडोवन हाडिल्ले 'कलाकाराची भेट' कार्यावळींत विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन करतना ते उलयताले.

ही कार्यावळ बटुकाक स्मृती प्रतिष्ठान हांच्या 'चलो स्कूल मॅगा ड्रायव्ह' आनी कोंकणी विभाग हांच्या जोड पालवान महाविद्यालयाच्या सभाघरांत निकतीच घडोवन हाडिल्ली. हे कार्यावळी खातीर कलाकार म्हणून मिनीन मारियो हांकां आमंत्रीत केल्ले. कार्यावळीचे सुरवातीक विभाग मुखेल डॉ. गुणाजी सदानंद देसाय हांणी येवकाराचें उलोवप केलें आनी मिनीन मारियो हांकां फुलांचो रोंपो भेटोवन येवकार दिलो. मॅक्जिला मिरांडा (तिसरें वर्स) हिणें सोयऱ्याची वळख करून दिली.

मिनीन मारियो हांणी कोंकणी विभागाच्या विद्यार्थ्यांक खेळ तियात्र आनी तियात्र हांचें वेगळेपण तशेंच खाशेलपणां खोलायेन सांगलीं.

'कलाकाराची भेट' कार्यावळींत विद्यार्थ्यां वांगडा संवाद सादतकच तियात्रिश्त आनी कलाकार मिनीन मारियो हांचे वांगडा कोंकणी विभाग मुखेल डॉ. गुणाजी देसाय, ग्लिनीस डायस, शिवानी वेरेंकार, सियालिनी फर्नांडीस आनी चौगुले महाविद्यालयाच्यो विद्यार्थिनी.

आपल्या तियात्र माचये वयल्या प्रवासा विशीं तांणी विद्यार्थ्यांक म्हायती दिली.

तांच्याच एका खेळ तियात्रांतलें ल्हानशें कांतारय तांणी गावन दाखयलें. अभिनय कसो करप, संवाद कशे म्हणप हें तांणी विद्यार्थ्यांक खूब बरे तरेन समजायलें. चलचित्रां विशीं तांणी विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. चलचित्रांत टेक वा रिटेक आसतात पूण तियात्रांत तशें नासता देखून माचयेचीं फकाणां करूंक फावनात अशें मत तांणी उक्तायलें.

खंयचीय संस्था अभिनय वा स्क्रीप्ट बरोवपाची कार्यशाळा आयोजीत करता तेन्ना विद्यार्थ्यांनी असल्या कार्यशाळांनी मुजरत वचून ताचो लाव घेवचो असोय सल्लो तांणी विद्यार्थ्यांक दिलो. तांच्या उलोवपा उपरांत विद्यार्थ्यांनी तांचे कडेन संवाद सादलो. विद्यार्थ्यांनी तांकां कांय प्रस्न विचारले. मिनीन मारियो हांणी विद्यार्थ्यांक तांचें समाधान जावपी जापो दिल्यो आनी आपणाक आयिल्ले अणभवूय सांगले.

संवसारीक मायभास दीस आनी संवसारीक कोंकणी दीस ह्या निमतान कोंकणी विभागान कांय सर्ती घेतिल्ल्यो. ह्या सर्तींच्या जैतिवंतांक ह्या वेळार कलाकार मिनीन मारियो हांचे आनी विभाग मुखेल डॉ. गुणाजी देसाय हांचे हस्तुकीं प्रमाणपत्रां भेटयलीं.

कार्यावळ येसस्वी करपा खातीर विभागाची सहाय्यक प्राध्यापक ग्लिनीस डायस, सहाय्यक प्राध्यापक शिवानी वेरेंकार आनी सहाय्यक प्राध्यापक सियालिनी फर्नांडीस हांणी मोलादीक हातभार लायलो. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन क्राय्जा वॅलेसा (दुसरें वर्स) हिणें केलें. सहाय्यक प्राध्यापक सियालिनी फर्नांडीस हांणी मानेस्तांचे तशेंच कार्यावळीक हाजीर आशिल्ल्यांचे उपकार मानले.

## घोगळ- फातोड्डेंच्यान बेपत्ता जाल्लो विठोबा अजून सांपडना

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**मडगांव:** घोगळ- फातोड्डेंच्यान विठोबा पेडणेकार (61) हो आपल्या घरांतल्यान 19 जून 2021 सावन ना जाला.

हे खबरेक आतां एक वर्स पूर्ण जावपाक आयलां तरी ताचो सोद लागना. ताचो पूत ओंकार पेडणेकार हाणें हे विशीं फातोड्डें पुलिशेंत कागाळ केल्ली. फातोड्डें पुलिसांनी ताचो सोद घेवपाचो यत्न केलो पूण अजून तो सांपडूंक ना. जर कोणाकूय तो दिसल्यार फातोड्डें पुलीस स्टेशनाक कळोवचें अशें आवाहन पुलिसांनी केलां.

## नोकरे खातीर कोंकणी सक्तीची करप गरजेची : विजय सरदेसाय

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**मडगांव:** कोंकणी ही भास, बोली न्हय हें स्वता मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केलां. कोंकणीक लागून गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळा. देखून नोकरे खातीर कोंकणी भास सक्तीची करप गरजेचें अशें फातोड्डें मतदारसंघाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें.

गोंयांत नुस्तेमारी खात्यांत सागर मित्र भरती खातीर जीं 24 पदां भरपाचीं आसात ते खातीर कोंकणी सक्तीची करात अशें हांवें त्या वेळार म्हणिल्लें. हीं 24 पदां भरपा खातीर जी जायरात दिल्ली तातूंत कोकणीचो स्पश्ट उल्लेख करिनासतना थळावे भाशेचें ज्ञान गरजेचें अशें म्हणिल्लें. थळावे उमेदवार आसल्यार बरें अशेंय म्हणिल्लें अशेंय तांणी सांगलें

## सकोजी नायक हांची 1 जूनाक टीव्हीर मुलाखत

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**हरमल :** देवूळवाड्या वयले नाट्यकलाकार सकोजी कृष्णा नायक हांची मुलाखत बुधवारा, 1 जूनाक सांजवेळा 4.10 वरांचेर पणजी दूरदर्शन केंद्रा वयल्यान प्रसारीत करतले. ही मुलाखत राजमोहन शेट्ये हांणी घेतल्या.

नाट्यकलाकार सकोजी नायक हे अश्टताशी व्यक्तीमत्व. समाजीक, इतिहासीक, पौराणीक तशेंच दशावतारी नाट्यप्रकारांत तांचें योगदान म्हत्वाचें. श्रींची इच्छा थिएटर्सान सादर केल्ल्या 'शेवंता जिती हाय', 'चांदणे शिंपीत जा', 'गरूडझेप' तशेंच हौशी मंडळाचे वतीन 'जन्मदाता', 'दावेदार', 'रानफूल', 'लंकेचा राजा', 'पंढरपूर', 'रामची ताई', 'सह्याद्रीने पेट घेतला', 'विशाळगडाच्या वाटेवर', 'मोहरा इरेला पडला' अश्या 20 परस चड नाटकांनी तशेंच दशावतारी नाट्यप्रकारांत 'भस्माचा टिळा', 'श्वेतपुण्य', 'ललाटरेखा', 'आंधळ्याची काठी', 'लंगड्याच्या हाती' ह्या नाटकांनी भुमिका साकारल्यात.

# गोंयचें राजकारण वेगळे दिशेन गेल्ल्यान गोंयकारांचेर गंभीर परिणाम जावं येता: ॲड. रमाकांत खलप

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**मडगांव :** गोंयचें राजकारण वेगळे दिशेन वचपाक लागिल्ल्यान ताचो गोंयकारांचेर गंभीर परिणाम जावं येता अशी खंत आदले केंद्रीय कायदो मंत्री ॲड. रमाकांत खलप हांणी उक्तायली.

मडगांवच्या कोंकणी भवनांत संगम प्रतिष्ठानान गजानन रायकार जयंती निमतान घडोवन हाडिल्ल्या सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे ह्या नात्यान उलयताले. ह्या वेळार माचयेर मानाचे सोयरे म्हणून लेखक आनी ज्येश्ठ पत्रकार अजित पैंगीणकार, गोंय विद्यापीठाच्या मराठी विभागाचे विनय मडगांवकार, रवींद्र केळेकार ज्ञानमंदिराचे वेवस्थापक प्रशांत नायक आनी संगम प्रतिष्ठानाचे पराग रायकार हाजीर आसले.

कूळ आनी मुंडकार हांच्या केशींचे निवाडे वर्सानवर्स जायत आसतात पूण तांकां न्याय मेळना. कांय राजकारणी हे गोंय सांबाळपाचो उलो मारतात पूण सत्तेर पावतकच सत्तेचो गैरफायदो घेवन ते स्वताच गोंय विकपाक लागतात अशें खलप हांणी सांगलें.

गजानन रायकार हांचे जयंती निमतान घडोवन हाडिल्ल्या सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले ॲड. रमाकांत खलप, अजीत पैंगीणकार, विनय मडगांवकार, प्रशांत नायक आनी पराग रायकार.

सर्गेस्त गजानन रायकार हांणी 18 वर्सांचे पिरायेचेर घरांतल्यान भायर सरून पुर्तुगेजां आड जो वावर केला तें तोखणाय करपा सारकें. तांणी गोंयांत खूबश्यो चळवळी पळयल्यो. आमदार म्हणूनय तांची कारकिर्द खूब मोलादीक आसली. ते एक बरे कवी आसले अशें तांणी सांगलें.

गोंयचो उदरगतीचो बावटो मुखार व्हरपाक रायकारांच्या विचारांचो आदर्श आमी घेवंक जाय आनी गोंय प्रगतीचे दिशेन व्हरूंक जाय अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार अजित पैंगीणकार हांणी शारांतली आनी गांवगिऱ्या वाठारांतली पत्रकारिता कशी आसा हे विशीं माहिती दिली. विनय मडगांवकार हांणी गजानन रायकार हांच्या कार्याची वळख करून दिली. प्रशांत नायक हांणी येवकार दिलो जाल्यार पराग रायकार हांणी उपकार मानले.

# श्रीगुरूंच्या शुद्ध तत्वाक शरण वचात

## ब्रह्मेशानंदाचार्य स्वामीजी : टेंभोडे-पालघर सद्‌गुरू पद्मनाभाचार्य स्वामीजी समाधी थळाक भेट

■ भांगरभूंय | खबरां मेज

**पणजी :** अध्यात्मीक मळार भारत सरकारान पद्मश्री पुरस्कार दिल्लो आसलो तरी ह्या पुरस्कारा मदीं पद्म आसा. ह्या श्रीक पद्मनाभान अळंकारीत केलां म्हणून पद्मश्री. गोंयांत ह्या पद्मनाभ स्वामीचें कार्य व्हडा प्रमाणांत विस्तारलां. सद्‌गुरू पद्मनाभ स्वामीनी सद्‌गुरू सुशेणाचार्य स्वामीजींक उपदेश केलो गोंयांतलो कोयर काडून उडय. हो सगलो पाश्चात्यांचो कोयर काडपा खातीर सद्‌गुरू पद्मनाभ स्वामीजीन अध्यात्माची शिदोरी दिवन सद्‌गुरू सुशेणाचार्य स्वामीजींक गोंयांत धाडलें. आयज पूज्य सद्‌गुरूचें अध्यात्मीक कार्य गोंयांत व्हडा प्रमाणांत वाडलां. त्या क्षेत्राक पद्मश्री पुरस्कार मेळ्ळो. पूज्य सद्‌गुरूंचो आशिर्वाद सदांच आमचे फाटल्यान आसप होच मोटो पुरस्कार. म्हणून पूज्य सद्‌गुरूंक अशें समर्पीत जायात की स्वताचें अस्तित्वूच मिटूंक जाय आनी उरूंक जाय एकूच पद्मनाभश्री. हेंच आमचें खरें जगप. जात, पात, पंथ हाचे पलतडीं वचून सद्‌गुरू पद्मनाभ स्वामीजीन आमकां तत्वज्ञान दिलें. त्या गुरूंच्या तत्वाक शरण वचात. तातूंतच सगल्यांचें हित आसा अशें श्री दत्त पद्मनाभ पीठ, पीठाधिश्वर पद्मश्री धर्मभूषण सद्‌गुरू ब्रह्मेशानंद स्वामीजींनी सांगलें.

पूज्य स्वामीजी विंगडविंगड कार्यावळींच्या निमतान मुंबय-नासीक भोंवडेर आसतना सद्‌गुरू पद्मनाभाचार्य स्वामीजी समाधी थळ - टेंभोडे पालघर-महाराष्ट्र हांगा भेट दिली. भारत सरकाराचे वतीन अध्यात्मीक मळार पद्मश्री पुरस्कार फावो जाल्ले खातीर ही भेट खास आसली. ह्या वेळार पूज्य स्वामीजी उलयताले.

मजगतीं, पद्मनाथ शिश्य संप्रदाय ट्रस्ट पदाधिकारी आनी शिश्यांचे वतीन पूज्य स्वामीजींक येवकार दिलो आनी पूज्य सद्‌गुरू भोवमान सुवाळ्यान आनंदोत्सव मनयलो. उपरांत पूज्य स्वामीजींचें दिव्य आशिर्वाचन आनी दर्शन जालें. हे दर्शनभेटी वेळार पूज्य स्वामीजींचे हस्तुकीं वेदमंत्रांच्या उद्‌घोशांत पुष्पमालार्पण, शिधा समर्पण आदी विधी जाले.

ह्या वेळार ॲड. ब्राह्मीदेवीजी, श्री दत्त पद्मनाभ पीठ संचालक मंडळ, समाजीक विभाग पदाधिकारी, क्षेत्रीय मुखेल आनी कृपाकांक्षी हाजीर आसले.

सद्‌गुरू पद्मनाभाचार्य स्वामीजींच्या समाधी थळाक भेट दिल्ल्या वेळार ब्रह्मेशानंदाचार्य स्वामीजी. कुशीक हेर मानेस्त.


गोंय सरकार

**उप रान संरक्षकाचें कार्यालय**

कार्य येवजण विभाग

**"गोंय वन भवन"**

आल्तीन पणजी गोंय 403001

फोन क्र. 0832-2492529 ईमेल: dcfwp-forest.goa@nic.in फॅक्स क्र. 0832-2492529

**कळोवणी**

**राज्य पांवड्या वयले तज्ञ समितीन वळखिल्ल्या खाजगी रान वाठाराचो नियाळ (थॉमस आनी आरावजो समिती)**

जे अर्थी, गोंय सरकारान पळयात अधिसुचोवणी क्र. DCF (WP)/Pvt. For/16 (THC)/2013(WZ)/19-20/26 तारीख 15/02/2020 आनी पळयात अधिसुचोवणी DCF (WP)/pvt. For/ 16(THC)/2013(WZ)/ 19-20/119 तारीख 15/03/2020 उत्तर आनी दक्षीण गोंय खातीर राज्य पांवड्या वयले तज्ञ समितीन तात्पुरते वळखून घेतिल्ल्या खाजगी रान वाठाराचो नियाळ घेवपा खातीर समिती स्थापन केल्या (थॉमस आनी आरावजो समिती).

आनी जे अर्थी, गोंयांतले खंयचेय जमिनीक खाजगी रान म्हणून आस्पाव करपाचे निकश अशे आसात.

(i) 75% झाडांची रचना फॉरस्ट्री स्पायसाची आसपाक जाय;

(ii) क्षेत्र एक तर सरकारी रान जमिनीक लागीं आसपाक जाय वा एकांतांत आसल्यार वळखून आशिल्लें उण्यांत उणें क्षेत्रफळ 5 हेक्टर आसपाक जाय; आनी

(iii) छप्पराची घनताय 0.4 परस उणी आसूंक फावना.

आनी जे अर्थी, 15 फेब्रुवारी 2020 आनी 15 मार्च 2020 दिसाचे नोटिसी वरवीं थॉमस आनी आरावजो समितीन तात्पुरते खाजगी रान म्हणून वळखिल्ले जमनीचे धनी, रावपी, सर्वेक्षण क्रमांकाचे प्रतिनिधी हांकां प्रतिनिधित्व/आक्षेप दाखल करपाची विनंती केल्ली. त्या प्रमाण संबंदीत पक्षां कडल्यान आक्षेप मेळ्ळ्यात.

आतां पुनरावलोकन समितीन थॉमस आनी आरावजो समितीन तात्पुरत्या स्वरुपांत खाजगी रानां म्हणून सोदून काडिल्ले सर्वेक्षण क्रमांकाचें पुनरावलोकन करपाचो निर्णय घेतला.पूण, डीसीएफ (कार्य येवजण) च्या फुडारपणा खालचे फाटले पुनरावलोकन समितीन पयलींच खाजगी रानांच्या रुपान निमाणे रूप दिल्ल्या सर्वेक्षण क्रमांक सोडून संबंदीत समित्यांनी आपल्या निमाण्या अहवालांत आस्पाव करूंक नाशिल्लो. ते प्रमाण खाजगी रानां खातीर पॅच पात्र क्षेत्र आनी छत्र निकशांचो भाग आशिल्लो सर्वेक्षण क्रमांक वळखून ताची स्थिती थारावपा खातीर स्पेसीस संरचने संदर्भांत क्षेत्र सत्यापना करपाक मेळटलें.

आतां देखून 15 फेब्रुवारी 2020 आनी 15 मार्च 2020 दिसा पयलींच्या नोटिसीच्या संदर्भांत गोंयच्या सगल्या तालुक्यांतले सर्वेक्षण क्रमांक सकयल जमीन धनी/रावपी प्रतिनिधी जाचें क्षेत्र थॉमस आनी अरौजो समितीन तात्पुरतें वळखलां तांकां हे वरवीं प्रतिनिधित्व करपाचें आमंत्रण केलां. आक्षेपांचे सुनावणी खातीर नोटीस उजवाडाक आयले पसून एका म्हयन्या भितर उप रान संरक्षक (कार्य येवजण) विभाग/वांगडी सचीव हाचे कडेन पत्र वेव्हार आनी मालकी कागदपत्रांच्या पत्त्या सयत आक्षेप. पत्तो आनी संपर्क तपशील दिवंक ना जाल्यार खंयच्याय संपर्काच्या उणावाक जमिनीचो धनी जापसालदार आसतलो.

संबंदीत प्रादेशिक विभागा खाला फुडली उप समिती दिसाळ्यांनी जायरात केल्या उपरांत गणनाचें काम करतली. संबंदीत जमिनीच्या धनयांक विनंती आसा की संबंदीत रेंज रान अधिकारी आनी उप समितीचे वांगडी सचीव (आरएफओ, पणजी खातीर गांसिम, आजोशी, गौळीम मळा, चोडण, साल्वार्दोर दो मुन्द, सुकूर गांव; आरएफओ, पेन्हा द फ्रॉंका खातीर केरी, शिवोली, करमळी गांव; आरएफओ, पेडणें खातीर पेडणें, कसवर्णे गांव;आरएफओ, बेतोडें, प्रियोळ खातीर फोंडें गांव आनी आरएफओ, दाबोळी, सांकवाळ गांवां खातीर कुर्टी).

उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय खातीर राज्य पांवड्या वयले तज्ञ समितीन (थॉमस आनी आरावजो समिती) तात्पुरते सोदून काडिल्ले खाजगी रान वाठारांचो गांव आनी तालुका प्रमाण तपशील सकयल दिल्ल्या प्रमाण असो आसा:-

| अनु.क्र. | तालुको | गांव | तात्पुरते वळखिल्ले अनु.क्र. | टिपणी |
|---|---|---|---|---|
| 1-7 | तिसवाडी | गांजे | 8,13,14,15,16.17,22 | |
| 8-9 | | | 4,32 | |
| 10 | तिसवाडी | गवळी मळा | 31 | अनु. क्र. 31/1 सोडून ज्याचें अंशत: शीम मेरोवणी केलां आनी डीसीएफाचे अध्यक्षते खाला पुनरावलोकन समिती वरवीं केलां आनी कार्य येवजण आनी जाचो अहवाल माननीय एनजीटीन स्विकारला. सर्वेक्षण क्रमांक 31 च्या शिल्लक क्षेत्राचो नियाळ घेवपाचो आसा. |
| 11 | | | 39 | अनु. क्र. 39/2 सोडून ज्याचें अंशत: शीम मेरोवणी केलां आनी डीसीएफाचे अध्यक्षते खाला पुनरावलोकन समिती वरवीं केलां आनी कार्य येवजण आनी जाचो अहवाल माननीय एनजीटीन स्विकारला. सर्वेक्षण क्रमांक 39 च्या शिल्लक क्षेत्राचो नियाळ घेवपाचो आसा. |
| 12 | तिसवाडी | आजोशीं | 8 | अनु. क्र. 8/1 सोडून ज्याचें अंशत: शीम मेरोवणी केलां आनी डीसीएफाचे अध्यक्षते खाला पुनरावलोकन समिती वरवीं केलां आनी कार्य येवजण आनी जाचो अहवाल माननीय एनजीटीन स्विकारला. सर्वेक्षण क्रमांक 8 च्या शिल्लक क्षेत्राचो नियाळ घेवपाचो आसा. |
| 13 | तिसवाडी | चोडण | 461 | |
| 14-13 | | | 137 (पी), 156 (पी), 227 (पी), 241 (पी), 251 (पी), 265 (पी), 270 (पी), 271 (पी), 282 (पी), 291 (पी), 292 (पी), 295 (पी), 297 (पी), 305 (पी), 312 (पी), 345 (पी), 349 (पी), 350 (पी). | |
| 32 | बार्देस | साल्वादोर दु मुन्द | 236 (पी) | अनु. क्र. 236/0 सोडून ज्याचें अंशत: शीम मेरोवणी केलां आनी डीसीएफाचे अध्यक्षते खाला पुनरावलोकन समिती वरवीं केलां आनी कार्य येवजण आनी जाचो अहवाल माननीय एनजीटीन स्विकारला. सर्वेक्षण क्रमांक 236/0 च्या शिल्लक क्षेत्राचो नियाळ घेवपाचो आसा. |
| 33 | | | 266 (पी) | अनु. क्र. 266/0 सोडून ज्याचें अंशत: शीम मेरोवणी केलां आनी डीसीएफाचे अध्यक्षते खाला पुनरावलोकन समिती वरवीं केलां आनी कार्य येवजण आनी जाचो अहवाल माननीय एनजीटीन स्विकारला. सर्वेक्षण क्रमांक 266/0 च्या शिल्लक क्षेत्राचो नियाळ घेवपाचो आसा. |
| 34-37 | बार्देस | सुकूर | 204, 176, 208, 221 | |
| 38 | बार्देस | पेन्ह द फ्रॉंका | 119 | |
| 39-40 | बार्देस | शिवोली | 306, 309 | |
| 41-42 | बार्देस | कामुर्ली | 7,172 | |
| 43 | पेडणें | पेडणें | 222 | |
| 44-46 | पेडणें | कासारवर्णे | 7,268, 270 | अनु. क्र. 7 (पी) आनी 270 (पी) सोडून ज्याचें अंशत: शीम मेरोवणी केलां आनी डीसीएफाचे अध्यक्षते खाला पुनराव-लोकन समिती वरवीं केलां आनी कार्य येवजण आनी जाचो अहवाल माननीय एनजीटीन स्विकारला. सर्वेक्षण क्रमांक 7 (पी) आनी 270 (पी) च्या शिल्लक क्षेत्राचो नियाळ घेवपाचो आसा. |
| 47-50 | फोंडें | बेतोडें | 220, 221,222,223 | |
| 51 | फोंडें | प्रियोळ | 199 | |
| 52 | मुरगांव | दाबोळी | 25 | |
| 53-54 | मुरगांव | सांकवाळ | 203,226 | |

पत्रवेव्हाराच्या पत्त्या वांगडा आनी मालकी दस्तावेज सयत प्रतिनिधित्व/आक्षेप, संपर्क क्रमांक सकयल दिल्ल्या पत्त्याचेर सादर करपाक शकतात.

उप रान संरक्षक,
कार्य येवजण विभाग,
गोंय वन भवन,
आल्तीन पणजी गोंय
फोन क्र. 0832-2492529
ईमेल: dcfwp-forest.goa@nic.in

सय/-
उप रान संरक्षक,
कार्य येवजण विभाग
वांगडी सचीव,
पणजी, गोंय

**डीआय/एडिव्हिटी/404/2022**

**मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.**

# राजस्थान 14 वर्सांनी फायनलींत

## आयपीएल: बटलराचो आकर्शक शेंकडो, बंगळुरूचें सपन भंगलें

■ खबरां संस्था

**अहमदाबाद:** इंडीयन प्रिमीयर लिगेचे (आयपीएल) दुसरे क्वॉलिफायर मॅचींत राजस्थान रॉयल्सान रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरूक 7 विकेटींनी हारोवन फायनलींत सुवात मेळयली.

29 मेक जावपी फायनलींत तो हार्दिक पांड्याच्या फुडारपणाखाला खेळपी गुजरात टायटन्सा आड खेळटलो. राजस्थान रॉयल्स 14 वर्सांनी आयपीएलाचे फायनलींत पावलो. दुसरे वटेन बंगळुरूचें वस्तादपण जोडपाचें सपन परतून भंगलें.

पयलीं बॅटींग करतना रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरून निर्धारीत 20 ओव्हरींनी 8 विकेटी वगडावन 157 धांवड्यो केल्यो. राजस्थानान 158 धांवड्यांची मोख 18.1 ओव्हरींनी 3 विकेटी वगडावन मेळयली.

राजस्थानाच्या जोस बटलरान जबरदस्त बॅटींग केली. ताणें 66 बॉलांनी नाबाद 106 धांवड्यांची खेळी केली. अंदूंच्या हंगामांतलो ताचो हो चवथो शेंकडो थारलो. अशे तरेन ताणें विराट कोहलीच्या विक्रमा कडेन बरोबरी सादली. कोहलीन 2016तल्या हंगामांत चार शेंकडे मारिल्ले.

राजस्थान 2008 उपरांत पयले खेपे फायनलींत पावला. आयपीएलाच्या पयल्या हंगामांत शेन वॉर्नाच्या फुडारपणाखाला खेळपी राजस्थान फायनलींत पाविल्लो आनी वस्ताद लेगीत थारिल्लो.

दुसरे वटेन बंगळुरू 2009, 2011 आनी 2016च्या हंगामाचे फायनलींत पाविल्लो. पूण, दरेक खेपे ताका उप वस्तादपणाचेर समाधान मानचें पडलां. धांवड्यांचो फाटलाव करपी राजस्थानान आक्रमक सुरवात केली. ओपनर यशस्वी जयस्वाल आनी जोस बटलर हाणें पांच ओव्हरींनीच पंगडाचो अर्द शेंकडो पुर्ण केलो. अखेरेक ही जोडी जोस हेझलवूडान फोडली. ताणें यशस्वीक वैयक्तीक 21 धांवड्यांचेर बाद केलो.

मजगतीं, बटलरान आपलें गियर बदलून 23 बॉलांनी अर्द शेंकडो पुर्ण केलो. ताणें मुखेली संजी सॅमसना वांगडा मेळून 10 ओव्हरींनी पंगडाचो शेंकडो पुर्ण केलो. हे जोडयेन दुसरे विकेटी खातीर 52 धांवड्यांची भागिदारी केली. ही जोडी जैत मेळोवन दिता अशें दिसता आसतना हसरंगान सॅमसनाक (23) बाद केलो. ते उपरांत बटलरान डावाची सगलीं सुत्रां आपल्या हातांत घेत पंगडाक जैताच्या लागसार व्हेलो. पूण, हेझलवूडान पडिक्कलाक (9) बाद करून राजस्थानाक तिसरो धपको दिलो.

मॅच जिखपाक 4 धांवड्यांची गरज आशिल्ली आनी बटलर 99 धांवड्यांचेर आशिल्लो. ताणें एक धांवडी घेत अंदूंच्या हंगामांतलो चवथो शेंकडो पुर्ण केलो.

# रोझमन निमाणें फेरयेंत

GOA TIGER CUP 2022
GOA'S BIGGEST INTER VILLAGE & VETERANS TOURNAMENT

■ भांगरभूंय | खेळां मेज

**पणजी:** असोल्डेंच्या सेंट ॲंथनी स्पोर्ट्स क्लबाक 4-2 अशा गोल फरकांनी हारोवन नागोवा-वेर्णेच्या रोझमन क्रूझान गोवा टायगर कप 2022 अखील गोंय आंतरगांव फुटबॉल सर्तीचे फायनलींत सुवात मेळयली. गोवा युनायटेड स्पोर्ट्स अकादमीन आयोजीत केल्ले सर्तींतली ही मॅच नावेलीच्या रोझरी मैदानाचेर जाली.

असोल्डेंच्या सेंट ॲंथनी स्पोर्ट्स क्लबान मॅचीच्या सव्याच मिनटाक गोल करून रोझमनाक धपको दिलो. हो गोल साफिक शेखान केलो. पूण, ताची ही आघाडी चड वगत तिगूंक ना. चार मिनटांनी रोझमनान बरोबरी सादली. हो गोल स्टिफनान केलो. 15व्या मिनटाक रोझमान 2-1 अशी आघाडी मेळयली. हो गोल जेसलॉयान केलो. मध्यांतरा मेरेन रोझमन 2-1 असो मुखार आशिल्लो.

मध्यांतरा उपरांत 46व्या मिनटाक स्टिफनान आपलो दुसरो आनी क्लबाचो तिसरो गोल केलो. तीन मिनटां उपरांत रोझमनान चवथो गोल केलो. हो गोल शेल्डनान केलो.

सेंट ॲंथनीन उपरांत गोल करपाचो खूब यत्न केलो. ताका 57व्या येस आयलें. पूण, ताका फक्त रोझमनाची आघाडी उणी करपाक येस आयलें. असोल्डेंच्या ज्योकीमाची मॅन ऑफ द मॅच पुरस्कारा खातीर निवड जाली.

**कळंगूटाच्या जैतांत बिबियानो पर्जळ्ळो**

भारताच्या अण्डर 17 पंगडाचो मुख्य प्रशिक्षक बिबियानो फर्नांडीसाच्या दोन गोलां नेटार कळंगूट वॅटरन्सान वेर्णा वॅटरन्साक 2-0 अशा गोल फरकांनी हारयलो.

धाव्या मिनटाक बिबियानोन क्लबाचें खातें उगडलें. ते उपरांत 26व्या मिनटाक ताणें आघाडी वाडयली. अखेरेक कळंगूटान 2-0 अशी आघाडी राखून जैत जोडलें. वेर्णा वॅटरन्साच्या रेमेडियोस बार्रेटोची मॅन ऑफ द मॅच पुरस्कारा खातीर निवड जाली.

# आर्यन खानाक क्लीन चीट; समीर वानखडे अडचणींत

■ खबरां संस्था

**नवी दिल्ली:** नामनेचो अभिनेतो शाहरूख खानाचो पूत आर्यन खानाक घुंवळे वखदां विरोधी पंगडान म्हणल्यार एनसीबीन क्रुझ शीप ड्रग्ज प्रकरणांत क्लीन चीट दिल्या. एनसीबीन आर्यन खाना सयत 6 जाणांची नांवां आरोपपत्रांतल्यान गाळ्ळ्यांत. एके वटेन आर्यन खानाक थाकाय दिल्ली आसतनाच दुसरे वटेन आर्यनाक ह्या प्रकरणांत अटक करपी एनसीबीचे अधिकारी समीर वानखेडे हे अडचणींत आयल्यात. ह्या प्रकरणांत निकृश्ट दर्जाचो तपास केल्ले खातीर आनी फटीचें जातप्रमाणपत्र सादर केल्ल्या प्रकरणांत गृह मंत्रालयान चवकशीचे आदेश दिल्यात.

अमीत शाह हांच्या खाला येवपी केंद्रीय गृह मंत्रालयान संबंदीत मंत्रालयाक (अर्थ मंत्रालयाक) एनसीबीचे आदले अधिकारी आशिल्ले समीर वानखेडे हांचे आड क्रुझ प्रकरणाचो निकृश्ट दर्जाचो तपास केल्ल्या प्रकरणांत कारवाय करपाचे आदेश दिल्ल्याचें एका खबरा संस्थेचे खबरेंत म्हणलां.

गोपांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण केंद्र सरकारान समीर वानखेडेच्या फटीच्या जातप्रमाणपत्रा विशीं पलयींच कारवायेक सुरवात केल्या. वानखेडे हांच्या फटीच्या जातप्रमाणपत्रा विशीं राष्ट्रवादीचे फुडारी नवाब मलीक हांणी पुरावे सादर करीत आरोप केले उपरांत ह्या प्रकरणांत तपास करून कारवायेक सुरवात केली. काल (शुक्रारा) एनसीबीचे उपनिर्देशक संजय सिंह हांणी वानखेडेच्या पंगडा कडल्यान तपास करतना चूक जाल्ल्याचें म्हणलां.

गोपांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण वानखेडेच्या फुडारपणा खाला केल्ल्या तपासांत खूबश्यो त्रुटी आशिल्ल्यो. तपास करतना, धाडी घालतना व्हिडिओग्राफी करूंक नाशिल्ली. सांपडिल्ल्या गजालीचो तपास करतना लेगीत चुकी जाल्यात. हातूंत आर्यन खानाच्या फोनांतले म्हायतीचो तपासूय चुकीचे पद्दतीन केल्ल्याचें निश्पन्न जालां. आर्यनाचो ह्या प्रकरणांत कांयच संबंद नाशिल्ल्याचें तपासांत स्पश्ट जालां.

# थानाच्या कांक्रा खातीर जातली तपासणी

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पणजी :** आंगणवाडी सेविकांचे मजतीन बायलांच्या थानाच्या कांक्रा खातीर तपासणी जातली. गोंयांत थानाच्या कांक्राचें प्रमाण वाडलां. हाका लागून थानाच्या कांक्रा खातीर बायलांची तपासणी करपाचो निर्णय भलायकी खात्यान घेतला.

थानाच्या कांक्रा विशीं गोंयांत जागृताय जातली. बायलां आनी भुरगीं उदरगत खातें, गोंय वैजकी म्हाविद्यालय तशेंच हेर सरकारी खात्यांच्या बायलां कर्मचाऱ्यांची तपासणी जातली.

मुखेल कार्यकारी अधिकारी गौरी गोडसे तशेंच हेर अधिकाऱ्यां कडेन भलायकी मंत्र्यांनी चर्चा केल्या. राज्यांत बायलां मदीं थानाच्या कांक्राचें प्रमाण चड आसा. ऑक्टोबर उपरांत गोंयांत 10 हजार बायलांची तपासणी जाली. हातूंत थानाचो कांक्र जाल्ली 7 बायलां मेळ्ळीं. गोंयांत तपासणे खातीर 142 शिबिरां जालीं. यू वी कॅन फावंडेशन, एसबीआय फावंडेशन आनी गोंय सरकारा वतीन थानाच्या कांक्रा खातीरची तपासणी जाता. यू वी कॅन फावंडेशना वतीन बायलांची तपासणी सुरू आसतनाच आतां सरकारा वतीन लेगीत तपासणी जातली. थानाच्या कांक्राचो सोद पयलीं लागप हें उपचारा खातीर पुरक थारता अशें भलायकी संचालक डॉ. गीता काकोडकार हांणी सांगलें. कांक्राचें दुयेंस दिसून आयलें की आमी उपचाराची शिफारस करतात.

ए बी प्रोडक्शन संस्थेच्या जाळवणदारां वांगडा साची सावंत

# साची सावंत 'मीस टीन गोवा'

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पेडणे:** ए बी प्रोडक्शन हे मॉडलींग संस्थेन आयोजीत केल्ल्या अंदूचे सर्तींत साची सावंत हे 16 वर्सां पिरायेचे चलयेन 'मीस टीन गोवा' हो किताब मेळयलो. नाच, खेळ, शिक्षण, वक्तृत्वांत ल्हानपणा सावन चमक दाखोवपी साची ही मीट टीन गोंय सर्तींत वांटेकार जाल्लें सगल्यांत ल्हान सर्तक आशिल्लें.

उणी पिराय आशिल्ल्यान ताका मीस गोंय सर्तींत वांटो घेवपाक मेळ्ळो ना. मीस टीन सर्तींत वांटेकार जाल्ल्या चलयांची पिराय 18 आनी ते परस चड आशिल्ली. साची आतां मीस इंडिया सर्ती खातीर पात्र थारायलां. साचीच्या येसांत तिची आवय सपना सावंत हिचो मोलादीक वांटो आशा.

ए बी प्रोडक्शन संस्थेंत अबरार नायक, संदेश सिंग, सोनू कुमार आनी अनोख भट वावुरतात. कलाकारांक आपले गुण दाखोवन दिवपाक ते संद दितात साची सावंतान सर्तींत वांटो घेवपाक दिल्ले खातीर तांचे उपकाम मानल्यात.

# लग्न वा हेर कार्यावळींत संगीत वाजोवपाक परवानगीची गरज

## पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयाचो आदेश

■ भांगरभूंय | पत्रक

**पणजी:** लग्न तशेंच हेर कार्यावळीं खातीर लावडस्पिकर लावन संगीत वाजोवपाक पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयान हालींच दिल्ल्या निकालांत परवानो घेवक सक्तीचें केलां. पुराय देशाक हो आदेश लागू जातलो. ताचो सगल्यांत चड फटको हॉटेल उद्देगाक बससलो तशेंच गोंयांत पर्यटन मोसमांत पार्ट्यो आनी संगीत रजनी कार्यावळी जाताशिल्ल्यान तांचेरूय परिणाम जातलो.

2019 वर्सा ऑगस्ट म्हयन्यात कॉरीरायट निबंधकान जारी केल्ल्या आदेशाक नोवेक्स कम्युनिकेशनान पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयांत आव्हान दिल्लें. धर्मीक समारंभ, लग्ना मिरवणक आनी हेर सामाजीक उत्सवांनी कसल्याय मुद्रीत संगिताचो वापर केल्यार कॉपीरायट कायद्याचें उल्लंघन जायना देखून परवानगी घेवपाची गरज ना अशें निबंधकान आदेशांत म्हणल्लें. पंजाब-हरियाणा उच्च न्यायालयान फाटल्या 29 मेक दिल्ल्या निकालां प्रमाण आतां परवानगी घेवप गरजेचें आसतलें.

याचिकादार नोवेक्स कम्युनिकेशन कंपनी झी एंटरटेनमेंट एन्टरप्रायझेस, इरॉस इंटरनॅशनल मीडिया, टिप्स इंडस्ट्रीज, रेड रिबन एन्टरटेनमेंट, एसपीआय म्युझिक, थर्ड कल्चर एंटरटेनमेंट तशेंच यश राज फिल्म्स हांचे अधिकृत एजंट आसात. नोव्हेक्स कम्युनिकेशन्स प्रमाण हॉटेल्स, पब तशेंच लग्न वा धार्मीक कार्यावळीच्या सुवातांनी शुल्क भरपाची गरज आसात. मात कॉपीरायट निबंधकान जारी केल्ल्या आदेशा उपरांत कांय जाणांनी शुल्क भरप बंद केलें आनी तांकां धमक्यो दिवपाक सुरवात केली.गोंयांत आवाज प्रदूशण विरोधी कायद्या प्रमाण राती 10.30 उपरांत व्हडा आवाजांत संगीत वाजोवपाक बंदी आसा. मात ताची खरसाणेन अंमलबजावणी जायना. ताका लागून दर्या देगांनी संगीत रजनी कार्यावळी आयोजीत करून रातीं उसरां मेरेन संगीत वाजोवपाचे प्रकार चलतात.

# वास्को रॅबीस जागृताय

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**वास्को:** वास्को सरकारी आयटीआय रॅबीस जाग्रुती कार्यावळ जाली. मिशन रॅबीस ही आंतरराष्ट्रीय बिगर सरकारी संस्था रॅबीस नियंत्रण मळार काम करता. मिशन रॅबीस इंडियाचे शिक्षण संचालक डॉ मुरूगन अप्पूपिलाय, शिक्षण अधिकारी डॉ ॲण्डी गिब्सन, संशोधन आनी ॲपिडेमिलॉजी वेवस्थापक डॉ इम्मा टेलर हांची ह्या वेळी भाशणा जालीं. गोंयांत 2013 सावन आतां मेरेन कुत्र्यांक रॅबीज विरोधी 4 लाख डोस दिल्यात. मिशन रॅबीजच्या आदल्या प्रशिक्षकांनी ह्या वेळार आपले अणभव सांगलें.

# केपें आपत्कालीन समिती बसकेंत डेंग्यूचो नियाळ

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**केंपें:** मोरपिर्ला पंचायत वाठारांत डेंग्यू दुयेंस पातळल्लेचे फाटभुंयेर केपें तालुक्याच्या उपजिल्होधिकाऱ्यान आपातकालीन वेवस्थापन समितीची बसका घेवन ताचो नियाळ घेतलो. तालुक्यांतल्यो 11 पंचायती तशेंच दोन पालिका वाठारांतली पावसा पयलींची काम पुराय करपा विशीं बसकेंत चर्चा जाली. सुमार 80 टक्के कामां पुराय केल्यात अशी म्हायती संबंदीत अधिकाऱ्यांनी बसकेंत दिली.

बसकेक केंप्याचे मामलेदार प्रताप गांवकार, वीज, पुलीस, बांदकाम खातें, रानां खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. केपें तालुक्याचो चडशा वाठारांत रानां आशिल्ल्यान लायटीच्या सरयांचेर आयिल्ले झाडांचे खांदे मारप, गटारां नितळ करपाचें काम पुराय करपाचो आदेश उपजिल्होधिकाऱ्यान दिलो.

मोरपिर्ला पंचायत वाठार नितळ दवोरपा खातीर बाळ्ळी भलयाकी केंद्रात लोक जाग्रुती करची अशी सूचोवणी बसकेंत केली. 1 जूनाक समितीची परत बसका जातली.

# आडवेळ्या पावसान केलें गांवस हाचें लुकसाण

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पिळगांव:** आडवेळ्या वयलो पावस आनी वारें हाका लागून अदूं काजी, आबें आनी पणर ह्या हंगामी फिकांचेर निंबून आशिल्ल्या शेतकारांचें कमर मोडलां. ही पिकां पुरायपणान सैमाचेर निंबून आसतात. मात हे खेपे सैमाकूच लागून पिकांचेर परिणाम जावंन शेतकारांचें बरेंच लुकसाण जालां. गिमोणे- पिळगांव हांगच्या सखाराम गांवस हांका हाचो बरोच धपको बसला.

गांवस आनी ताचें कुटूंब आडवेळाच्या पावसास लागून अर्थीक आडमेळ्यांत आयलां. काजू बागायतींत काम करपा खातीर गांवस हाका 1 लाख 45 हजार रुपये खर्च आयल्यो मात काजू बियो विकून ताका फकत 40 हजार रुपया मेळ्ळे. कामगरांचे पयशे दिवपाक ताचे कडेन पयशे नात अशी परिस्तिती ताचेर आयली. पावसाक लागून भिंडाचें बरें पीक आयलें मात सोलां सुकोवपाक मेळूं नाशिल्ल्यान तीं कुसून गेलीं.

सखाराम गांवस

सरकारी येवजणे पळोवन शेतकार खोशी जाता मात लुकसाण जाल्ल्यार सरकारा कडल्यान व्हडलेंशें काय मेळना अशी खंत सखाराम गांवस हांणे उक्तायली. आतां फुडल्या वर्सा बरें पीक येतले हे आशेन ताणे काजू बागायतीतलीं झोंपा मारून ती नितळ करपाचें काम सुरू दवोरलां. काजू हंगाम येतकचू उसने पयशे वेपाऱ्यां कडल्यान घेवन शेतकार ते कामगारांक दितात. आडवेळार पडल्ल्या पावसान शेतकारांचें सगळें गणित इबाडून वडयलां

कॅप्शन- बैलापार न्हंयची पळोवणी करतना पेडणेचो उपजिल्होधिकारी रोहन कासकार, मामलेदार अनंत मळीक आनी हेर अधिकारी (निवृत्ती शिरोडकार)

# बैलापार न्हंय हुंवाराचेर नियंत्रण उपाय येवजण

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पेडणे:** कासारवर्णे बैलापार न्हंयेक पावसांत हुंवार आयल्यार कसली उपाय येवजण करपाची हे खातीर पेडण्याचे उपजिल्होधिकारी रोहन कासकार, मामलेदार अनंत मळीप, चांदेलचो सरंपच तुळशीदास गांवस, कासारवर्णेचो सरपंच सुवर्ण तेली तशेंच उदकास्रोत खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी पळोवणी केली.

दर वर्सा बैलापार न्हंयेक हुंबार येवंन लागींच्या चार- पांच घरांनी उदक वता. थंयचो रस्तो बडून येरादारी बंद जाता. शेतां आनी बागायतींत उदक वता. अदूं तशें जावचें न्हय हे खातीर उपाय येवजण करपा खातीर ही पळोवणी केल्ली. थळावे शेतकार आनी लोकांच्यो सूचोवण्यो तांणी आयकल्यो. बैलापार न्हंयचें उदक हेर कडेन वळोवपा खातीर पंप हावस बांदतात. ताका लागून फुडाराक जायत्यो समस्या उप्रासपाक शकतात असें भास्कर नारुलकार हांणी उपजिल्होधिकाऱ्याचे नदरेक हाडून दिलें.

बैलापार न्हंयेचेर जो अशीर बंधारा आसा ताचे सुवातेर रुंद बंधारो बांदपाची सूचोवणी थळाव्या लोकांनी केली. बैलापार न्हंये कुसीक पंप हावस बांदपाक शेतकार तशेंच पंचायतीचो विरोध आसा. शेतकारांचे ताका लागून व्हड लुकसाण जातलें अशें उदय महाले हांणी सांगलें. हुंवार नियंत्रण येवजणे खाला जें कितें करप शक्य आसा तें करपाचें आस्वासन उपजिल्होधिकारी रोहन कासकार हांणी ह्या वेळार लोकांक दिलें.

# तेनसिंग नोरगे साहस पुरस्कारा खातीर नामांकना मागयल्यांत

■ भांगरभूंय | पत्रक

**पणजी:** भारत सरकाराच्या युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान 2021 वर्साच्या तेनझिंग नॉरगे राष्ट्रीय साहस पुरस्कारां खातीर नामांकनां मागयल्यांत. हो पुरस्कार साहस क्षेत्रातल्या कामगिरीखातीर दितात. भुंय, दर्या आनी हवेतल्या साहसी कामगिरीखातीर प्रत्येकी एक पुरस्कार दितात. तशेंच एक आजीवन पुरस्कार दिवपा खातीरय तजवीज केल्ली आसा.

ह्या पुरस्कार येवजणेचे नेम आनी विहित नमुन्यातले अर्ज खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या व्हेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. 2019, 2020 आनी 2021 ह्या तीन वर्सांत भुंय, दर्या आनी हवेतल्या साहसी प्रकारांत उत्कृश्ट कामगिरी केल्ल्या इत्सुक उमेदवारांनी खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी गोंय हांच्या शिफारसी उपरांत आपले अर्ज ता. 16 जून 2022 मेरेन https://awards.gov.in ह्या पोर्टलाचेर अपलोड करचे. अर्ज आनी नेम खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या www.dsya.goa.gov.in. ह्या व्हेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

चड म्हायती खातीर श्रीमती मनुजा सावईकर, एपीईओ हांचेकडेन मो. नं. 9923907149 संपर्क करचो अशें कळीत केलां.

# सान चलयांचे आगळीक करूंक सोदप्याक अटक

■ भांगरभूंय | पतिनिधी

**पणजी:** दोन सान चलयांचेर आगळीक करपाक पळोवपी तन्वीर अहमद (52, मूळ उत्तर प्रदेश) हाका बिरेस्तार पमजी पुलिसांनी अटक केली. ह्या प्रकरणात पिडेस्त चलयांच्या घरच्यांनीं पुलीस स्टेशनांत कागाळ केल्ली.

तन्वीर भाटलें- पणजी हांका चिकन सेंटरांत कामाक आसा. बिरेस्तारा सांजे ताणे आशिकुशीक कोण ना हें पळोवन ताच्या सेंटरा कडल्यान वचपी दोन सान चलयांक सेंटरांत हाडलें आनी उपरांत तांचो गैरफायदो घेवपाचो यत्न केलो. चलयो घरा आयल्यो नात तें पळोवन एके आवयन सोदपाक सुरवात केली तेन्ना सेंटरा भायर चलयांची जोती पळोवन दार उगडल्यार चलयो आनी अन्वर भितर आशिल्ल्याचें तांका दिसलें. तांणी अन्वराक कितें करता अशें विचारल्यार तो कांय सांगपाक शकलो ना.

चलयांक सेंटरांत घेवन गेल्ले खातीर थळाव्या लोकांनी अन्वर हाका मारपेट केली आनी पुलिसांक आपयलें. एजीओ कडल्यान चलयां कडेन चवकशी केली तेन्ना ताणे अन्वरान लिंगीक अत्याचार केल्ल्याचें सांगलें. पुलिसांनी उपरांत ताका अटक केली. पुलीस निरीक्षक निखिल पालयेकाराच्या मार्दर्शना खाला बायल उपनिरीक्षक लॉरीन सिक्वेराक अटक करून ताचे आड गोंय बाल हक्क कायद्याच्या कलम 8 (2) तशेंच पॉक्सो खाला गुन्यांव नोंद केला.

# काणकोण भलायकी केंद्रांत तीन दीस कोवीड वासिना

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**काणकोण:** काणकोणच्या सामाजीक भलायकी केंद्रांत सप्तकांतल्या तीन दिसांत कोवीड वासिना दितलते. मंगळार, बिरेस्तार आनी शुक्राराक आनी दुसऱ्या सप्तकांत सोमार, बुधवार आनी शुक्रार ह्या दिसांनी वासिना दितले.

कोविडाचो दुसरो डोस घेवन तीन म्हयने पुराय जाल्ल्या भलायकी कर्मचारी, विदेशांत वचपी लोकांक तिसरो डोस दितले. वासिना घेवपी लोकांनी ओटीपी मेळपा खातीर बांगडा मोबायर हाडपाची सूचोवणी वैजकी अधिकाऱ्यान केल्या.

लोकभाषेत लोकांचो आवाज

# भांगरभूंय

To get the **Free PDF** copy of **भांगरभूंय** on whatsapp daily

Click here and join our official Whatapp Group.

log on to Bhaangarbhuin.com @Bhaangarbhuin

Facebook.com/Bhaangarbhuin